# श्री लयरायी देवीचें लोकमानसांत आशिल्लें स्थान: एक अभ्यास

## (Shree Lairai Deviche lokmanasath Aashile sthaan: Ek Aabhyas)

**एम. ए. पदवे खातीर**

**कोंकणींत सादर केल्लो प्रबंध**

**KON-650**


**सोदवावर करपी: कु पुजल प्रकाश नागवेंकर**

**22P0180021**

**ABC ID - 700-296-199-424**

**PRN - 201909252**

**मार्गदर्शक: डॉ. प्रकाश पर्येंकार**

**सहयोगी प्राध्यापक**

**कोंकणी अध्ययन शाखा शैण गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशाळा**

**गोंय विद्यापीठ, ताळगांव गोंय**



**2024**

**DECLARATION BY STUDENT**

I hereby declare that the data presented in this Dissertation report entitled, "Shree Lairai deviche Lokmanasath Aashile Sthaan: Ek Aabhyas" is based on the results of investigations carried out by me in the konkani at the Shenoi Goembab School of Languages & Literature (SGSLL) Goa University under the Supervision of Dr Prakash S. Parienkar and the same has not been submitted elsewhere for the award of a degree by me. Further, I understand that Goa University or its authorities will be not be responsible for the correctness of observations or other findings given the dissertation.

I hereby authorize the University authorities to upload this dissertation dissertation repository or anywhere else as the UGC regulations demand and make it available to any one as needed.

P. Nagvekar.
(Poojal Nagvekar)
Signature and Name of Student

Seat no: 22P0180021

Date: 15 April 2024

Place: Goa University

## COMPLETION CERTIFICATE

This is to certify that the dissertation report "Shree lairai deviche lokmanasath Aashile sthaan: Ek Aabhyas" is a bonafide work Carried out by Ms Poojal Prakash Nagvekar under my supervision in partial Fulfilment of the requirements for the award of the degree of konkani in the Discipline Shenoi Goembab School of Languages & Literature (SGSLL) at the Goa University

Signature and Name of Supervising Teacher

Date:

Signature of Dean of the School

GOA UNIVERSITY ★ SHENOI GOEMBAB SCHOOL OF LANGUAGES & LITERATURE ★ TALEIGAON PLATEAU

School/ Stamp

Date:

Place: Goa University

# प्रस्तावना

“श्री लयरायी देवीचे लोकमानसांत आशिल्लें स्थान: एक अभ्यास” ह्या विशयाचेर हांवे वावार केल्लों आसा. प्रस्तूत सोदवावर करून हांवे म्हज्या विशयाक न्याय दिला. ह्या प्रबंधातल्यान देवीच्या भाविकांची श्रध्दा समजून घेवन तांचेर अभ्यास केला. तशेंच मुलाखती घेवन जायती म्हायती एकठांय केल्ल्या. भाविकानी बरयल्ले साहित्य सोदून काडून त्या साहित्याचेर विस्तारान भाश्य केलां. देखीक: फुगडी, धालो, आरती, गीता, कविता, आनी लेख.

प्रस्तूत सोद वावरांत स प्रकरणां आसा. प्रस्तावना, विशय प्रवेश, हेतू, आवाठ, .मर्यादा आनी संशोधन पद्दती. दुसऱ्या प्रकरणात गोंयांतल्यो देवी, देवांचीं देवस्थना आनी होमखणांच्यो जात्रा. तशेंच तिसऱ्या प्रकरणात श्री लयराय देवीची म्हयमा, धार्मिक विर्ध आनी भक्तगण. चवथ्या प्रकरणात गोंयांतली नामनेची देवी ल्यरायीची जात्रा हांच्या संदर्भान विस्तारान बरयला. पांचव्या प्रकरणात श्री लयराची देवीचो उल्लेख आशिल्लें मौखीक आनी लिखित साहित्य मांडला. जाल्यार सव्या प्रकरणांत पुराय अभ्यासाचो समारोप आनी निश्कर्श रितसर मांडला.

हातूंतल्यान जायत्या जाणाक ह्या विशयाचेर म्हत्वाची म्हायती गांवतलीं आनी मुखार हांचो बरों वापर करून घेवपाक तांकां मदद्त जातली.

# मनोगत

म्हज्या जिवितांतलो एक मैलाचो फातर हुंपपाची म्हाका संद दिल्ले खातीर हांव सगल्यांत पयलीं गोंय विद्यापीठाचें उपकार मानतां. गोंय विद्यापीणचे शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशालेचे प्रा. डॉ. प्रकाश पर्येंकार हांणी दिल्ल्या प्रोत्साहना खातीर तांकां नमळायेन दिनवासतां. सतत योग्य सल्ले दिवन उर्बा वाडोवपी म्हाशालेचे कोंकणी अध्ययन शाखेचे संचालक, डॉ. हनुमंत चोपडेकार हांचे प्रती हांव खूब कृतज्ञताय व्यक्त करतां.

प्रस्तूत प्रबंध बरयताना म्हका योग्य रितीन मार्गदर्शन केल्ले खातीर आनी म्हाका आयिल्ल्यो सगळ्यो अडचणीं समजून घेतिल्ले खातीर हांव म्हज्या मार्गदर्शक, डॉ. प्रकाश पर्येंकार हांचें हांव उपकारी आसा. तांणी दाखयल्ली सोंशिकताय, तत्परताय आनी समरसताय लाख मोलाची आशिल्ली. तांचे सल्ले आनी शेरो घेवन हांवें हो सोद वावर मुखार व्हेला.

ह्या अभ्यासा खातीर म्हाका जायत्या जाणानी मदत केल्ल्यान हांव तांका देव बरें करूं म्हणटा. मुलाखती घेतना ज्या लोकानी म्हाका आदार केला, तांकां हांव दिनवासता.

म्हाका सदांच साथ दिवपी म्हजो आवय- बापूय, श्रीमती आनी श्री. प्राजक्ता प्रकाश नागवेंकर, तांचे हांव सदांच उपकारीं. हो सोद वावर करताना म्हजी विचारपूस करपी म्हज्या पुराय शिक्षक वर्गाक आनी कर्मचारी वर्गाक हांव दिनवासतां.

शेवटाक, म्हजे कडल्यान हो अभ्यास करून घेतिल्ले खातीर हांव सर्वव्यापी परमेश्वरा मुखार आनी म्हजे अंतस्करणांतले सदसदविवेकबुध्दी मुखार नतमस्तक जाता.

थळ: गोंय विद्यापीठ.　　　　　　　　कु. पुजल प्रकाश नागवेंकर

# सारांश

गोंय राज्यातल्या शिरगांव गांवचे देऊळ आनी भाविकां मदीं फामाद आशिल्ले लयरायीची महिमा अभ्यासून ते महिमे फाटलें निश्चीत अशें कारण सोदून काडला. संदर्भात जो विशय निवडला हांचे फाटले कारण म्हळ्यार लयराय देवीची जात्रा ही पुराय गोंयभर फामाद आसा.

देवी लयरायीचे देवळांत जावपी वार्सुकी परबों आनी उत्सव. ताचे फाटलीं कारणां. पद्दती, धर्मीक विधी हाचो सखोल अभ्यास हांगा केलां. हाचे खातीर भावीक, भक्तगण, धोंड, पुजारी, चौगुले, गांवकार आनी म्हाजन हाचे कडल्यान माहिती एकठांय करून ताचेर मतां मांडल्या.

देविचो कळस. कौल उत्सव. देवी लयराई संदर्भात बरयल्ल्यो आरती, भक्ती गितां, धालो, फुगडी, कविता आनी  लेख  हांचोय हांगां विचार करून देविचें महात्म्य वा तिची म्हयमा अधोरेखीत केल्या.

हतूंतल्यान जण एकल्याक देवी लयरायीच्या संदर्भान जाणविकाय, तिची म्हयमा म्हज्या ह्या सोद वावरांतल्यांन अभ्यासूक मेळटली.

# मांडावळ

## “श्री लयरायी देवीचें लोकमानसांत आशिल्लें स्थान: एक अभ्यास”


**प्रकरण: 1** **- 1**

**1.प्रस्तावना.**

1.1 विशय प्रवेश.

1.2 संशोधनाचो उद्देश.

1.3 संशोधनाची कल्पना / संशोधनाचे प्रस्न.

1.4 आंवाठ.

1.5 संशोधन पद्दती.

1.6 देवी लयरायची म्हायती.

**प्रकरण: 2** **- 11**

**2. गोंयांतल्यो देवी, देवांचीं देवस्थाना आनी होमखणांच्यो जात्रा.**

**2.1 देवीचीं देवळां.**

2.1.1 शांतादुर्गा देवी - दिवचल गोंय.

2.1.2 श्री भगवती देवी - पेंडणे गोंय.

2.1.3 श्री म्हाळसाय देवी - म्हाड्डोळ.

2.1.4 श्री कामाक्षी देवी - शिरोडें गोंय.

2.1.5 श्री नवदुर्गा देवी - मडकंय, फोंडे गोंय.

2.1.6 श्री महामाया देवी - मयें, दिवचल.

2.1.7 श्री मोरजाई देवी - मोरजे, पेडणें गोंय.

2.1.8 श्री लयराय देवी - शिरगांव गोंय.

**2.2 देवांचीं देवळां**.

2.2.1 दामोदराचें देवूळ - वास्को गोंय.

2.2.2 साईबाबाचें देवूळ - खोर्ली म्हापसा.

2.2.3 श्री रामनाथ देवूळ - फोंडें गोंय.

2.2.4 श्री मारुती संस्थान - पणजे गोंय.

2.2.5 श्री सप्तकोटेश्वर देवूळ - नार्वें, दिवचल गोंय.

**2.3 गोंयांतली पुरातन देवळां.**

2.3.1 श्री महादेव देवूळ - तांबडी सुर्ला

2.3.2 श्री महालक्ष्मी देवूळ - बांदोडें गोंय.

2.3.3 श्री रुद्रेश्वर देवूळ - हरवळें साखळीं.

2.3.4 श्री विजयदुर्गा देवी - फोंडें गोंय.

2.3.5 श्री देवकीकृष्ण रवळनाथ देवस्थान - मार्शेल फोंडें.

**2.4 गोंयांल्यो कांय फामाद होमखणाच्यो जात्रा.**

2.4.1 श्री शांतादुर्गा देवस्थान - पिळगांव, दिवचल गोंय.

2.4.2 श्री शर्वाणी वेताळ देवस्थान - साळगांव, बार्देस.

2.4.3 श्री देवी कुळमाया - सर्वण, कारापुर दिवचल.

2.4.4 श्री भुमीका देवस्थान चोडण - तिसवाडी.

2.4.5 काळोबा देवस्थान - शिवोली, बार्देस.

2.4.6 व्हडेश्वर देव - बोर्डें दिवचल गोंय.

2.4.7 कुडणेश्वर देवस्थान - कुडणें दिवचल.

2.4.8 गांवकरवाडो सुर्लो.

2.4.9 श्री सातेरी ब्राम्हाणी महादेव देवस्थान-नाणूस.

2.4.10 श्री देवी लयराय - शिरगांव बार्देस गोंय.

**प्रकरण 3 - 28**

**3. श्री देवी लयराय देवीची म्हयमा, धार्मिक विधी आनी भक्तगण.**

3.1 लयराय देवीचें शिरगांव गांवांत आगमन.

3.2 सात भयणी आनी एका भावाची अद्‌भूत काणी.

3.3 लयरायीची बाटिल्ली भयण मिलाग्र देवी.

3.4 देवी लयरायची तळी.

3.5 लयराय देवीचे वर्सुकी उत्सव.

**प्रकरण 4** **- 37**

**4. गोंयांतली नामनेची देवी लयरायीची जात्रा.**

4.1 शिरगांवची देवी लयरायची जात्रा.

4.2 लयरायचे जात्रेक भावीकांची गर्दी.

4.3 लयराय देवीचें होमखण.

4.4 देवी लयराय देवीचो कौल.

4.5 लयराय देवीच्या धोंडांची देवी विशीं आशिल्ली भक्ती.

**प्रकरण 5** **- 50**

**5. श्री लयरायी देवीचेर बरयल्लें मौखीक आनी लिखित साहित्य**

**5.1 फुगडी**

5.1.1 देवी लयरायची फुगडी

5.1.2 माझे ग दारी गुलाब फुलला

**5.2 धालो**

5.2.1 पान म्हजे फोफळ तुजे

5.2.2 घाटाची लयरायी गे बाबडी

**5.3 गीत**

5.3.1 आई लईराई

5.3.2 लयरायीचे धोंड आमी

5.3.3 माझी लयराई

**5.4 आरती**

5.4.1 जगत जननी लयरायी

5.4.2 होनखणातूनी चालता

**5.5 कविता**

5.5.1 आई महजी ल्यराई

5.5.2 आई म्हजी लयराई

5.5.3 श्री देवी लयराई

5.5.4 शिरगांवची आई म्हजी देवी लयराई गे तूं

**5.6 वर्तमान पत्रीय लेख**

5.6.1 लयरायीची जात्रा आनी भक्तांची उमेद

5.6.2 लोकसंस्कृतीतली लयरायी

**प्रकरण 6** **- 77**

**समारोप आनी निश्कर्श**

6.1 समारोप

6.2 निश्कर्श

# प्रकरण पयलें

## 1. **प्रस्तावना**

भारत देशांत साबार धर्म आसात. ह्या धर्मांतल्या देवदेवतांचीं असंख्य देवथळां आसात. गोंय हें भारताचें एक सुपुल्लें राज्य. अरबी दर्याचे देगेर आशिल्लो कोंकण हो प्रदेश  निसर्ग आनी सांस्कृतीक नदरेन गिरेस्त आसा.

गोंय म्हळ्यार आमची गोमंतभूंय. गोवापुरी, सुवर्णप्रात, गोमन्तक अश्या साबार नांवानी तिका वळखतात. धर्मीक आनी सांस्कृतीक नदरेन गिरेस्त आशिल्ले हे भुंयेर इगर्जो, मशिदी, बौध्द काळांतल्यो  होवऱ्यो तशेंच जैन धर्माचीं मंदिरां हांगां आसात. वेगवेगळ्या धर्मांतल्या देवदेवतांचें वास्तव आशिल्ले हे भुंयेक खाशेलें म्हत्व आसा.

हिंदू धर्माचो विचार केलो  जाल्यार  सांतेरी, केळबाय, ब्राम्हणीमाया, लयराय, जोगेश्वरी, भुमीका, वनदेवता, भगवती, खामणदेवी, म्हाळसा, शर्वाणी, मजगी देवी,जगदंबा,बेताळ, रवळनाथ, मोरजाय, महामाया, माऊली, शांतादुर्गा अश्यो थळाव्यो देव देवता आसात. तशेंच  राम, कृष्ण, शीव, गणपीत, पार्वती, लक्ष्मी ह्या वैदीक देव देवतांची  पुजा वा आराधना करपाची चाल हांगां रूढ जाल्ली आसा.

गोंयांत आशिल्ल्या वैदीक देवतांची मंदिरां पुराय हिन्दुस्तानात आसात. तांकां त्या त्या प्रातांतले भावीक वेगळ वेगळ्या रुपानी वळखतात आनी पुजतात. दर एका प्रदेशांत धर्मीक विधी आनी चाली रेतींत वेगळेंपण आशिल्ल्याचें जाणवता.

गोंय ही परशुरामाची भूंय अशी आख्यायीका आसा. भगवान विष्णु आपल्या जायत्या अवतारांक लागून वळखतात. परशुराम हो ताचो सवो अवतार. परशुरामान सह्याद्री दोंगरांतल्यान अरबी दर्यांत बाण मारून गोंयची ही भूंय रचल्या अशीं आख्यायिका आसा. ताच्या अस्तित्वाचो पुरावो म्हण काणकोण तालुक्यांत परशुरामाचीं दोन देवळां आसात. हालींच कांपाल पणजी हांगां गोंय सरकारान परशुरामाचो पुतळो उबारिल्लो आसा.

गोंय प्रदेशाचेर साबार राजवटीनी राज्य केलां, देखीक: शिलाहार, चोल, चालुक्य, कदम राजा, विजयनगरचो राजा, बिजापूरचो अदिलशाह आनी पोर्तुगेज. ह्या राजवटींतूय धर्मीक तशेंच पुर्तुगेज काळांत हिंदूचीं कांय देवळां उध्वस्त केलीं. सामाजीक परिवर्त जालें. थळावे लोक आपले देव घेवन दुसरे कडेन स्थलांतरीत जाले.

गोंय भुंयेर थळाव्या देवदेवतांक भजपी आनी तांचें पुजन करपाची चाल हजारानी वर्सां पासून चलत आयल्या. दक्षीण, मध्य आनी उत्तर कोंकणांत ह्या चालीरितींत खुबशी समानताय दिसून येता. ताचे भायर गांवां गांवांनी

देवचारांची पुजा अर्चा करपाची चाल हांगां आसा. थळावे लोक आंगवणी करतात. नवस करतात. आपल्या बऱ्या खातीर गाराणी आनी सांगणी करून घेतात. वर्धापन दिसा देवींच्यो ओटी भरतात. बऱ्या कार्या खातीर प्रसाद पाकळी घेतात. वर्साचे बाराय म्हयने  वेगवगेळे परबो आनी उत्सव हांगां मनयतात.

## 1.1 विशय प्रवेश

गोंयांत जात्रा मनोवपाची पुरातन चाल आसा. फातर्फें हांगासर शांतादुर्गा कुकंळीकरीण, शांतादुर्गा फातर्फेंकारीण, माड्डोळ हांगासर म्हालसाय, दिवचल हांगासर देवी शांतादुर्गा, मुळगांव हांगाची देवी केळबाय, म्हापसा हांगासर देव बोडगेश्वराची जात्रा अश्यो जायत्यो जात्रा गोंयांत जातात.

तशेंच होमखाणाच्यो जात्रा गोंयांत व्हडा उमदीन मनयतात. शिरगांव, कुडणें, एकोशी, चोडण, सुर्ल, सर्वण, शिवोली, साळगांव, बोड्डें-दिवचल, कारापूर ह्या गांवांनी होमखणाची जात्रा मनोवपाची चाल आमच्या गोंयांत आसा. ह्या सगळ्यां जात्रां भितर शिरगांव गांवची श्री लयराय देवीची होमखणाची जात्रा गोंयांत फामाद आसा. **‘अग्नीक कश्टां खावपी देवी’** आशी तिची जनमानसांत ख्याती आसा. उत्तर गोंयांतल्या बार्देश तालुक्यांत शिरगांव

गांवची श्री लयराय देवी एक महत्वाची देवी. गोंयां भायर देवीचे असंख्य भावीक आसात. लयराय देवीचे भावीक, भक्तगण, धोंड व्हडा संख्येन तिचे हे होमखंडाचे जात्रेक भक्ती भावान येतात.

शिरगांवची जात्रा हो गोंयचो फामाद वर्सुकी उत्सव. हे जात्रेचें एक खाशेलेपण म्हळ्यार व्हडल्या अग्नी कुंडांतल्यान पेट्ट्या कोळशावयल्यान धोंड चलत वयतात. ताचे खातीर पयलीं म्हयनो भर आनी मागीर जात्रे पयलीं पांच दीस कडक व्रत पाळटात. घराभायर तळार रावपी हे धोंड गोंयांतल्या वेगवगेळ्या वाठारांत व्रत पाळटात आनी जात्रेच्या दिसा शिरगांवां येतात.

श्री लयरायची म्हयमा, तिचें व्हडपण पुराय गोंय आनी कोंकणात  आसा. भावीक  मनातल्यान तिका मानतात. तिका उलो केलो जाल्यार ती आपणाक पावता आशी भाविकांची भावना आसा.

श्री लयराय आपल्या भक्तगणा भितर भेदभाव करिना. ताका लागून आनी हिन्दू धर्मातल्या  वेगवेळ्या जातींतले भावीक आनी धोंड तिची भक्ती भावान पुजा करतात. ह्या सगळ्या वरवीं श्री लयराय देवीचें लोक मानसांत आशिल्लें स्थान अधोरेखीत करपाचो ह्या प्रकल्पांत हांवें प्रयत्न केला.

देवीचे वर्सुकी उत्सव आनी परबो, वर्सुकी होमखणाची जात्रा, धोंडांचें व्रत,कौल, वेगवेगळ्या धर्मांतले आनी जातींतले भावीक, गोंय आनी गोंयांभायर

आशिल्ले तिचे भावीक, तशेंच मौखीक आनी ह्या देवीचेर बरयल्ल्या साहित्याचो अभ्यास जावंचो हो उद्देश ह्या संशोधना फाटलो आसा. ह्या सगळ्या वरवीं श्री लयराई देवीचें लोक मानसांत आशिल्लें स्थान अधोरेखीत करपाचो प्रयत्न आसा.

## 1.2 संशोधनाचो उद्देश

- श्री लयराई देवीची इतिहासीक फाटभूंय समजून घेवप
- परबो, उत्सव आनी हेर धर्मीक विधींचो अभ्यास करप.
- श्री  लयराई देवीची धोंडाची जात्रा (होमखण) हाचें महत्व आनी वेगळेंपण सोदप.
- धोंडांचें व्रत अभ्यासून तातूंतलें वेगळेंपण सोदप.
- धर्म आनी जातीतले भक्तगण आनी तांची देवीचेर आशिल्ले श्रद्देविशीं अभ्यास करप.
- श्री देवी लयराई संदर्भात बयरल्ल्या साहित्याचो नियाळ करप.( अभंग, भक्ती गितां, कविता आनी हेर गद्य लेख हांचोय  विचार करून देविचें महात्म्य वा तिची म्हयमा अधोरेखीत करप.

## 1.3 संशोधनाचीं संकल्पना

- वसभर जावपी देवीचे वीधी-उत्सव.
- मंगळारच्या मंगळारा देवळात येवपी लोक देवी लयराईच्या प्रती.
- वेग- वेगळ्या गितांचेर संकलन करतले.
- सोविनीयर , लेख, पुस्तीका, दिसाळ्यानी आयिल्ल्यो कवीता हांच्या आदार घेवन हांव अभ्यास करतले.
- गोंयच्या कांय म्हत्वांचा जात्रेचे आडावे घेतले. “देवीच्यो जात्रा”

## संशोधनाचे प्रस्न

- गोंय राज्यांत श्री लयराई देवीचें महत्व आनी तिची म्हयमा अधोरेखीत करप.
- श्री लयराई देवीचें लोकमानसांत आशिल्लें स्थान  सोदप.
- श्री लयराई देवीचें वर्सुयभर चलपी धर्मीक उत्सवांचं वेगळेंपण सोदप.
- गोंय राज्यांत श्री लयराई देवीचें धोंड  खंय आनी कितले आसा ताचो सोद घेवप. 25,000 हजारा वयर आसा हांचो नोद गांवता.

- जे धोड गोंया भायर आसता तें देंवीच्या जात्रेच्या दिसानी एकवाद कशें पाळटात.
- गोंयांतल्या होमखण जात्रांचें महत्व

## 1.4 आंवाठ

- मंगळार हो देविचो दीस. ह्या दिसा दोवळांक येवपी वेंचीक बाविकांचो मुलाखती घेवन  म्हायती एकठांय करप जातली.
- तशेंच गोंयभर लाखानी धोंड आशिल्ल्या अभ्यासाचे नदरेन वेंचीक वाठारांतल्या धोंडाच्यो मुलाखती घेवपाचेर भर आसतलो.
- वर्तमान पत्रांत आयिल्ले लेख आनी समजा माध्यामांचेर आशिल्ली लिखीत म्हायती, ऑडिओ आनी व्हिडिओचो वापर म्हया ह्या अभ्यासा खआतीर जातलो.

## 1.5 संशोधन पद्दत

1. समाजशास्त्रीय संशोधन पद्दत- Sociological Study
2. पुराणकथाविद्या  - Mythology
3. मुलाखत - Interview Method

## 1.6 लयराय देवीची म्हयमा

लयराय देवीविशीं कांय आख्यायीका आसात. कांय लोक लयरायीची म्हायती सांगतात. ती अशी - लयराई देवी गोंयंची एक शक्ती देवता आसून तिचें थळ शिरगांवांत आसा. देवीची मुळावी मुर्त तांबऱ्या स्वरूपाची आसून तिची उत्सव मूर्त चतुर्भूज आसा. लयराय देवीचो पयली फाटो नाशिल्लो तिकां कळस रूपीणी म्हूण पुजताली.

देवी म्हणटाली आपूण कडक सोवळ्याची. अग्नी भक्षक करपी अशी देवी. उजव्या हातात अग्नी आनी दाव्या हातात उदक घेवन चलपी. तर  देवीक मोगरेचे कळे खूब आवडटा. तिच्या कळसात लेगीत मोगरेचो एक कळो घालता, आनी तो कळो पुराय वर्स भर तसोच उरता. देवीन केल्ले चमत्कार पळोवन लोक तिजेर आपणाली श्रध्दा भाव दवरता.

**संदर्भ:**


1. Couto, Maria. Goa a daughter’s story. New Delhi Toronto : Penguin Books,2005.
2. https://m.wikisource.org/wiki/Page:Konkani_Viswakosh_Vol2.pdf/407

3. Mankekar, Kamla. Culture religious traditions in temples of Goa. Publications Division, Ministry of Information & Broadcasting, Government of India,2004.
4. https://www.slideshare.net/mrunuppt/goan-temples
5. Pereira,Gomes Rui. Hindu temple, Broadway publishing house,2019.

# प्रकरण दुसरें

# प्रकरण: 2 गोंयांतल्यो देवी, देवांचीं देवस्थानां आनी होमखणांच्यो जात्रा.

## 2.1 देवीचीं देवळां

### 2.1.1 शांतादुर्गा देवी - दिवचल गोंय

गोंयांत आमकां जायतीं देवळां पळोवंपाक मेळटात. तातूंतलेंच एक म्हत्वाचें देवूळ म्हळ्यार देवी शांतादुर्गेचें देवूळ. चडशां वाठारानी आनी गांवां गांवांनी आमकां हे देवीचें देवूळ स्थापीत केल्ले पळोवंपाक मेळटा. देवी शांतादुर्गेक सांतेरीच्या रूपान वळखतात. देवळांनी तिका पाशाणी मुर्तीच्या रुपांत पुजतात. इतकेंच न्हय तर  तिका रोयणीच्या रूपांत पुजपाचीय परंपरा आसा.

शांतादुर्गा देवीचें जायते उत्सव आमकां पळोवंपाक मेळटात. देखीक दिवचल वांठारांत जावपी नवो सोमार, फातर्फे हांगां जावपी शांतादुर्गा कुंकळीकारणीची जात्रा. अशे जायते उत्सव गोंयांत जातात. श्री देवी शांतादुर्गा देवस्थान-गांवकर वाडो दिवचल, श्री देवी शांतादुर्गा कळंगुटकारीन- नानोडा, शांतादुर्गा फातर्फेकारीण - फातर्फे, शांतादुर्गा कुंकळीकारीण, अशीं जायतीं देवळां गोंयांत आसात.

### 2.1.2 श्री भगवती देवी - पेंडणे गोंय

भगवतीचे देवूळ पेंडणे तालुक्यांत आसा. तें देवूळ गोंयांतलें पुर्विल्लें देवूळ आसून ताकां 500 वर्सांचो इतिहास आसा. भगवतीक शिवाची बायल पार्वती देवीचो अवतार मानतात. ह्या तिच्या देवळांत दसरो व्हडा उमेदीन मनयतात. देखून थंय हजारानी लोक ह्या उत्सवांत वांटो घेतात.

### 2.1.3 श्री म्हाळसाय देवी - म्हाड्डोळ.

म्हाड्डोळ गांवांत म्हाळसायेचें एक खूब सुंदर देवूळ आमकां पळोवंपाक मेळटा. म्हाळसायची वळख विष्णु देवाचे बायलेचो अवतार मोहिनी अशें मानतात. म्हाड्डोळच्या देवळांत शांतादुर्गा, सांतेरी आनी लक्ष्मी नारायण हांचीं ल्हान देवळां आसात.

ह्या सगळ्यांची म्हाळसाय वांगडाच पुजा करतात. ग्रामपुरूष, भगवती धाम, सिंह पुरूष आनी म्हाल पुरूष अशा पांच मुखेल गुणांचीं देवळां लेगीत ह्या देवळांच्या आवारांत आसात. तशेंच तिचे जायते उत्सव मनयतात. देखीक म्हाड्डोळची म्हाळसायची जात्रा, नवरात्रीचो उत्सव आनी हेर.

### 2.1.4 श्री कामाक्षी देवी - शिरोडें, गोंय.

कामाक्षीचें देवूळ शिरोड्यां ह्या वांठारांत आसा. हजारानी लोक ह्या देवळांत देवीचें दर्शन घेवपाक येतात. ह्या देवळांत चडशे लोक अमाशेच्या वेळार येतात. लोंकाची अशीं मानसीकताय आसा की कामाक्षीच्या देवळांत वचून न चुकता पांच अमाश्यो केल्यो जाल्यार आपल्या मनातली ईत्सा पुराय जाता. कामाक्षी देवी ही शांतादुर्गा देवीचें प्रतीक अशें मानता.

### 2.1.5 श्री नवदुर्गा देवी - मडकंय, फोंडें गोंय.

श्री नवर्दुर्गेचें देवूळ फोडें तालुक्यांत मडकंय ह्या गांवांत आसा. ह्या देवळाक सुमार 500 वयर वर्सांचो इतिहास आसा. देवीचें हें एक उग्र रूप आसून तिका महिषासुरमर्दिनी ह्या नांवान वळखतात.

तशेंच दर म्हयन्यात नवदुर्गेची पालखी काडटात. ते भायर चतुर्थी ते दशमी मेरेन हजारानी लोक देवीच्या वर्सुकी जात्रे खातीर जमतात.

### 2.1.6 श्री महामाया देवी - मयें, दिवचल.

दिवचल म्हालांतल्या मयें गांवांत आशिल्लें श्री महामाया देवस्थान हें एक म्हत्वाचें मंदीर. तिचें देवूळ चड व्हडलें ना, पूण तें खूब सुंदर आसा. देवळांत देवीची सोबीत पाशाणी मुर्ती आसा. हांगां साबार उत्सव जातात. महामाया ही देवी लयरायीची दुसरी भयण. दर वर्सा तिची व्हडली भयण देवी केळबाय दोन दिसा खातीर बेताच्या पेटाऱ्यांत बसून म्होवाळ्याच्या रूपान महामाया देवीच्या जात्रेक तिका भेट दिवपाक येता. सगल्या भयणीं मदीं महामाया देवी चड शांत आनी दैवीक शक्तिचें रूप अशें मानतात.

### 2.1.7 श्री मोरजाई देवी - मोरजे, पेडणें गोंय.

पेडणें म्हालांतल्या मोरजे गांवांत श्री मोरजाई देवीचें देवूळ आसा. हें पुर्विल्लें इतिहासीक देवूळ आसून. तें देवूळ देवी मोरजाईक समर्पीत केलां. आपल्या खेतोबा भावा वांगडा येवन ह्यो सात भयणी, गोंयच्या वेग- वेगळ्यां वांठारानी रावल्यात. मोरजाई ही देवी सात भयणी मदली एक. तिच्या देवळांच्या वणटींचेर कावी कला केल्ली दिश्टी पडटा. मोरजाईच्या देवळांतलो मुखेल उत्सव म्हळ्यार कळस उत्सव. हो उत्सव दर तीन, पांच, सात वा णव

वर्सानी एक फावट मनयतात. फाल्गुन शुद्द पंचमी सानव सुरू जावपी हो उत्सव सुमार म्हयनोभर चलता.

### 2.1.8 श्री लयराय देवी- शिरगांव गोंय.

गोंयांतली सगळ्यांत नामनेची देवी म्हळ्यार देवी लयराय. ती गांवच्या लोकांक सगळ्या तरांच्या संकश्टापासून तांची राखण करता. देवी लयरायची कळसाच्या रूपांत पुजा करतात.

गोंयचे सांस्कृतीक दायज दाखोवपी अशें जिवंत आनी रंगीत उत्सवा खातीर शिरगांवचें जात्रेची नामना आसा. हांगासर आमकां हजारानी वर्सां पयलीं सुरू जाल्ल्यो चाली रीती तशेंच गोंयची पोरणीं संस्कृताय आमकां पळोवंपाक मेळटा.

तिच्या जात्रे वेळार उज्याच्या कोळशांतल्यान चलप ही एक पारंपारीक पद्दत आसून वायटाचेर बऱ्याचें जैत अशी लोकभावना आसा.

## 2.2 देवाचीं देवळां

### 2.2.1 दामोदराचें देवूळ - वास्को गोंय.

दामोदराचें देवूळ वास्को शारांत आसा. हें गोंयांतलें एक लोकप्रिय देवूळ. दामोदराक शिंवाचो अवतार अशें मानतात. इतकेंच न्हय तर दर वर्सा वास्को दामोदराचें सप्तक जाता. ह्या सप्तकाक वांटो घेवपाक हजारानी लोक देव दामोदराची भेट घेतात.

### 2.2.2 साईबाबाचें देवूळ - खोर्ली म्हापसा.

साईबाबाचें देवूळ खोर्ली ह्या गांवांत वर्स 1954 सालांत साईबाबाच्या भक्तांनी स्थापीत केलां. ल्हानशा दोंगराचेर हें देवूळ बांदलां. ताचे सय भोंवतणी पांचवीचार झाडां पेडां आनी शांत वातावरण आसा. तशेंच ह्या देवळांत जायते उत्सव जातात. बेरेस्तार दिसा साईबाबाची पालकी काडटात. साईचे भक्त मोठे संख्येन थंय उपस्थीत रावतात.

### 2.2.3 श्री रामनाथ देवूळ - फोंडें गोंय.

गोंयांतलें एक नामनेचें देवूळ म्हळ्यार श्री रामनाथाचें देवूळ. रामनाथ देव हें शंकराचें एक रूप मानतात. रामनाथाच्या देवळाक हिंदू संस्कृतायेत व्हड म्हत्व आसा. तशेंच जायते उत्सव, जात्रा, कालो व्हडा उमेदीन हांगा मनयतात. जायते लोक, तशेंच भावीक देवाचें दर्शन घेवंपाक ह्या देवळांत येतात.

### 2.2.4 श्री मारूती संस्थान- पणजे गोंय.

गोंयांतली साबार हिंदू देवळां पुर्तुगेजानी नश्ट केलीं, ते वेळार हनुमानाची मुर्त लोकानीं लिपोवन दवरिल्ली. उपरांत पुर्तुगेजाची छळणूक कमी जातकच मारूतीचें देवूळ बांदपाक सुरू केलें. हें देवूळ  मळा पणजी हांगां एका उंच दोगराचेर बांदलां.

इतकेंच न्हय तर ह्या देवळांत हनुमंत जयंती व्हडा उत्सवान मनयतात. शेनवारा दिसा लोक मारूतीक तेल घालपाक त्या देवळांत येतात.

### 2.2.5 श्री सप्तकोटेश्वर देवूळ - नार्वे, दिवचल गोंय.

हें गोंयांतलें एक नामनेचें देवूळ. जय खुबशे भक्त आपली प्रार्थना करतात. ह्या देवळांक मोगल वास्तूकलेचो स्पर्श आसून देवळांच्या सभाघरा खातीर युरोपी आराखड्याची भरसण आसा. ह्या देवळाचो जिर्णांव्दार शिवाजी महाराजात केला म्हणपाचे इतिहासीक पुरावे आसात. देशभरांतले भक्त ह्या देवळाक भेट दितात.

## 2.3 गोंयांतलीं पुरातन देवळां

### 2.3.1 श्री महादेव देवूळ - तांबडी सुर्ला.

पुराय गोंयांतलें सगळ्यांत पुरर्विल्लें देवूळ म्हळ्यार, तांबडी सुर्ला हांगा आशिल्लें महादेवाचें देवूळ. हें देवूळ तेराव्या शेंकड्यांत कंदबा राजवटींत बांदलां. इतकेंच न्हय तर हें देवूळ महादेवाक समर्पीत केल्लें आसा.

काळ्या फातरानी बांदिल्लें हें देवूळ आसून ह्या देवळांच्या गर्भकुडींत लींग बसयल्लें आसा. तें शिवाचें प्रतीक अशें मानतात. हांगासर महाशिवरात्रीचो उत्सव व्हडा उमेदीन मनयतात.

### 2.3.2 श्री महालक्ष्मी देवूळ- बांदोडें गोंय.

महालक्ष्मी ही शक्ती आनी बळग्यांची देवी आसून ती आदिशक्ती आनी उर्जेचें रूप अशें मानतात. सारस्वत गोंयांत पावंचे वेळार शिव शक्ती शिवाचें प्रतिनिधीत्व म्हूण लिंगाच्या रूपान तिची पुजा करतात. श्री महालक्ष्मी देवीची शिलाहार राज्यकर्ते तशेंच गोंयचे कदंब राजाय तिची पुजा करताले.

### 2.3.3 श्री रूद्रेश्वर देवूळ - हरवळें साखळीं.

श्री रूद्रेश्वराचें देवूळ दिवचल तालुक्यांत आसा. रूद्रेश्वराचें देवूळ एका पुर्विल्ल्या थळाच्या जाग्यार नव्यान बांदिल्लें आसून, ताका भगवान शिवाचें देवूळ अशेंय म्हणटा. थंय भक्त स्वताक आनी आपल्या पूर्वजांक आशीर्वाद मागपाक वतात. ह्या देवळांच्या लागसार सोबीत धबधबो आसा.

धबधब्याक फुडों करून श्री रूद्रेश्वर देवाचीं प्रतिमा आसा. महाशिवरात्रेच्या उत्सवाक लागून थळाव्यां लोंकांची व्हड गर्दी जाता. हिंदू लोक मेल्ल्या मनशांची विधी करपाखातीर ह्या तिर्थार येवन विधी करतात.

### 2.3.4 श्री विजयदुर्गा देवी - फोंडे गोंय.

श्री विजयदुर्गा देवी ही भारतीय संस्कृताय आनी परंपरेंन वेगवेगळ्या हिंदू लोकांची देवी. शिव आनी विष्णु हांच्या झुजांत तिणें हस्तक्षेप करून थंयच्या बाम्हणांक त्रास दिवपी राक्षसांक मारपाखातीर ती साकवाळ गेल्ली अशें म्हणटात.

साकवाळच्या सगळ्यां राक्षसांचो नाश करताना, तिका विजय हें नांव मेळ्ळें आनी तिका मुखार विजयदुर्गा अशें नांव दिलें. अशें तरेन ही देवता दुर्गा देवीचें एक रूप. विजयदुर्गेचें देवूळ पयलीं सांकवाळ हांगाच्या श्री शंकळेश्र्वरी शांतादुर्गा आनी लक्ष्मीनरसिंह हांचे लागीं आशिल्लें. पूण आतां तें केरी, फोंडें हांगा स्थलांतरीत केलां.

### 2.3.5 श्री देवकीकृष्ण रवळनाथ देवस्थान - मार्शेल फोडें.

श्री देवकीकृष्ण रवळनाथ हें देवूळ गोंयांतल्या सारस्वत समाजान स्थापन केल्लें देवूळ. सुरवातीक हे परशुरामान हाडिल्ल्या देवळां मदलें एक. ह्या देवाक पिसो रवळनाथ अशेंय म्हणटात. ह्या देवळाचो चडसो इतिहास अस्पश्ट आसा. हांगां देवकीक, देवकीकृष्ण म्हणून श्री कृष्णाची पुजा करतात.

## 2.4 गोंयांतलीं कांय फामाद होमखणाच्यो जात्रा

### 2.4.1 श्री शांतादुर्गा देवस्थान - पिळगांव, दिवचल.

पिळगांव ह्या वाठारांत जावपी श्री शांतादुर्गा देवीचो होमखण उत्सव फाटलीं कितलींशीच वर्सां चालू आसा. हजारानी भक्तगण ह्या उत्सवांत वांटो घेतात. हांगासर दर वर्सा देवीचो कळस उत्सव आनी होमखण एकाच दिसा जाता. देवीचें धोड जाच्यानी व्रत धरिल्लें आसता तें होमखणांतल्यान प्रवेश करतात. इतकेंच न्हय तर धोलाच्या तालार देवी नाचता. हे खातीर हजारानी भावीक थंय व्हडा संख्येन गर्दी करतात.

### 2.4.2 श्री शर्वाणी वेताळ देवस्थान - साळगांव, बार्देस.

श्री शर्वाणी वेताळ देवस्थान, हांगासर हो होमखणाचो उत्सव जाता. साळगांव ह्या गांवांत दर वर्सा शिगम्याच्या वेळार हें होमखण पेट्टा. पयलींपासून त्या गांवांतले लोक होमखणांतल्यान प्रवेश करतात. थंयचे लोक सकाळीं फुडें होमखणाकडेन सांगणें करतात. आनी रातच्या 8.30 वरांचेर होंमखाणाक उजो घालता. सुमार 60 - 70 वर्सां पयलीं ही पंरपरा सुरू जाल्या. त्या गांवांतले आनी भायले लोक ह्या होमखणातल्यान प्रवेश करतात. खंयच्याय

जाती- धर्मांतले लोक ह्या होमखणातल्यान वचूं शकतात अशी त्या गांवच्या लोकाची मान्यताय आसा.

### 2.4.3 श्री देवी कुळमाया - सर्वण, कारापुर दिवचल.

सर्वण कारापुर ह्या गांवांत दोन वाड्यांचेर होमखण पेट्टा. एक सर्वण वाडो आनी दुसरो धावस्कर वाडो. सर्वण वाड्यावयलें होमखाण शिगम्याच्या दिसा घोडे मोडनी जाता ते वेळार पेट्टा.

त्या दिसा पयलीं थंय घोडेमोडणी जाता आनी रातच्या वेळार होमखाण पेट्टा. थंयचे भक्तगण त्या होमखाणातसून चलत वतात. ही परंपरा फाटलीं कितलीशींच वर्सां त्या गांवांत चलू आसा. धावस्कर वाड्यार जें होमखाण पेट्टा ते कुळमाया देवीच्या देवळाकडेन जाता. हें होमखण देवीच्या जात्रे दिसा पेट्टा.

### 2.4.4 श्री भुमीका देवस्थान चोडण - तिसवाडी.

चोडण ह्या गांवांत दोन हेमखणां जातात. एक भुमीका देवीच्या देवळा कडेन आनी दुसरे देवकी कृष्ण ह्या देवळा कडेन. हो उत्सव मार्च म्हयन्यात शिगम्याच्या दिसानी मनयतात. थंयच्या जाणट्यानी ही होमखाणाची परंपरा

सुरू केल्ली. थंयचे भावीक ह्या उत्सवाची व्हडा उमेदीन वाट पळयतात. ह्या होमखणाचो उत्सव जाले उपरांत थंय दर एकलो नाल्ल फोडून देवाचो प्रसाद म्हण घरा व्हरता.

### 2.4.5 काळोबा देवस्थान- शिवोली, बार्देस.

शिवोली हांगां जावपी काळोबा देवाचें होमखण उत्सव पाडव्या दिसा जाता. रातच्या 12 वरांचेर होमखण पेट्टा. त्या होमखणांतल्यात इत्सा आशिल्ल्यान गेल्यार जाता. जात धर्म हांचे बंधन थंय नासता. लोक आपणीन आंगयल्ली कामा जावची म्हूण त्या दिसा शिवोली वचून काळोबा देवाचे दर्शन घेतात.

### 2.4.6 व्हडेश्वर देव बोर्डे दिवचल गोंय.

दिवचल बोर्डे हांगासर जावपी होमखण शिगम्याच्या दिसानी पेट्टा. आनी त्या होमखणांतल्यान थंयच्यांच वांठारतले धोंड प्रवेश करपाक शकतात. हेरां लोकांक त्या होमखणांतल्यान वचपाक मेळना. होमखणांतल्यान वयच्या पयलीं पांच दीस एकवाद पाळता.

### 2.4.7 कुडणेश्वर देवस्थान - कुडणें दिवचल.

कुडणेश्वर देवाच्या जात्रे वेळार होमखण पेट्टा. तेन्ना त्या वांठारातले धोंड होमखणांतल्यान वयचे पयलीं पांच दीस देवाचे एकवाद पाळटात. भायल्या लोकांक त्या होमखणांतल्यान वचपाक मेळना.

### 2.4.8 गांवकरवाडो सुर्लो

ह्या गांवांत गांवकर वाडयार जें होमखण जाता ते फक्त थंयच्या गांवांपुरतेच आसता. तातूंतल्यान गांवांतले लोक त्या होमखणांतल्यान वयतात. भायल्या लोकांक त्या होमखणांतल्यान वचपाक मेळाना.

### 2.4.9 श्री देवी लयराय - शिरगांव बार्देस गोंय.

श्री देवी लयरायची जात्रा म्हणल्यार शिरगांवचे सुख समृध्दीचें प्रतीक, अग्नीदिव्य म्हणजेच होमखण आनी हेच तिच्या जात्रेचें खाशेलेंपण.

लयराय देवीची होमखणाची जात्रा पुराय गोंयची जात्रा. तिची सासाय संवसारभरांत गाजता. ही होमखणाची जात्रा खूब नामनेक पावल्या अशी लोकाची भावना आसा. तिच्या जात्रे वेळार होमखणांतल्यान चलप ही एक

परंपरा. शुध्दीकरण आनी वायटाचेर बऱ्याचें जैत मेळोवपाचें तें एक प्रतीक. व्रत आनी देव भक्तीची कृती म्हणून धोंड अनवाळ्या उकत्या पांयांनी इगळ्या वयल्यान चलत वयतात. हे जात्रे पयलीं पांच दीस धोंड कडक उपास धरतात.

### 2.4.10 सातेरी ब्राम्हाणी महादेव देवस्थान - नाणूस सत्तरी.

सातेरी ब्राम्हाणी म्हादेव देवस्थानाचें होमखण उत्सव तिच्यां जात्रेच्यां वेळार बेतकीकर वाडयार जाता. हातूंतल्यान त्या गांवचें लोक होनखणांतल्यान प्रवेश करता. फाटली कितलीशींच वर्सां हो होमखणांचो उत्सव थंय मनयतात.

## संदर्भ:


1. केळेकार, गुरुनाथ. *गोंयां तुज्या मोगा खातीर*. कामत बिल्डिंग, मडगांव: गुरुनाथ केळेकार,१६ नोव्हेंबर २०१७
2. नायक,जय. *'शिरगांवची सासाय'*. भामय पाळी-गोंय, 2012.

3. Mankekar, Kamla. *Culture and religious traditions in temple of goa.* Publication Division, Minister of Information & Broadcasting, Government of India, 2004.
4. Pereira,Gomes Rui. Hindu Temples, Broadway publishing house,2019.

# प्रकरण तिसरें

## प्रकरण: 3 श्री देवी लयराय देवीची म्हयमा, धर्मीक विधी आनी भक्त गण.

देवी लयरायीचेर श्रध्दाभाव दवरपी लोक पुराय गोंयभर आसात. लयराय देवी ही सैम देवता. मुड्डेर रोयणीच्या रुपांत तिचें आदलें थळ आसा. कळस रूपांत ती तिच्या देवळांत बसल्या. पेट्ट्या होमखणांतल्या ती चलून वता. धर्तरे वयल्या जिवीताक आदार करपी, पंच महाभुतां हातूंत उजो, उदक आनी धर्तरी हीं भोव म्हत्वाचीं आसतात.

धर्माच्या जातीपातींच्यो वण्टी तिच्या पांया कडेन कोसळून पडटात. सगलेच लोक एकठांय येवन तिच्या पांयां कडेन नतमस्तक जातात. वेगवेगळ्या स्वरकणांतल्यान येवपी तरेकवार सूर तिच्या मंडपात पावतकच एका सुरांत आनी व्हडा उमेदीन तिजो नांवघोष करतात.

**“बोला पुंडलीक वरदे हरी विठ्ठल… पार्वती पते हर हर महादेव… सिताकांत स्मरणम जय जय राम. श्री गुरुदेव दत्त … श्री लयराई माता की जय”** हो जयघोश आयकून मनांत आनी काळजांत भक्तीची केणां झडटात, आनी पुराय तन मन एकवटून भक्ती भावार्थान तिच्या पांयाकडेन भक्त एकाग्र जातात. मनात आशिल्लो सगलो अहंकार, दुस्वास, राग, क्लेश आनी त्राशिल्लें मन तिच्या भक्ती सामर्थ्यान भंय मुक्त जाता.

जिवितांतली सगलीं संकश्टां ना नपयत जातात. लयराईच्या नामस्मरणांत इतली तांक आसा की जिवितांतलें वजें देवून तकली शांत जाता आनी फुडें सरपाक मार्ग गावता. मोगरेचे कळे जशे कुडीक थंडसाण दितात तशेंच लयराय मायेच्या यादीन मनाक धादोसकाय फावो जाता.

**3.1 श्री लयराय देवीचे शिरगांव गांवांत आगमन.**

लयराय देवीचें आगमन शिरगांव गांवांत केन्ना जाल्लें हें कोणाक खबर ना. पूण आमच्या जाणत्याच्या मता प्रमाण सुमार हजार वर्सां पयलीं सायबिणीचें आगमन शिरगांवच्या गांवांत जालां अशें थळावे सांगतात. तिर्थाक वचपाच्या निमतान भायर सरिल्ली सायबीण घाटा वयल्यान गोंयचे भुंयेर पावली अश्यो आख्यायिका आसात. ती येतना एकलीच येवंक ना, तर आपल्या वांगडा तिणें आपल्या भावाक आनी भयणींक घेवन ती आयली. देव खेतोबा, देवी केळबाई, देवी महामाया, देवी मिराबई, देवी मोरजाई, देवी म्हालसाई, आनी देवी अजादीपा ह्या आपल्या सात भावंडा वांगडा तिणें गोंयांत प्रवेश केल्लो.

गोंयांत आयले उपरांत हीं सात जाणां वेग वेगळ्या वाठारानी वचून रावलीं. देवी लयराई शिरगांवा मुड्डेर येवन रावली. मुड्डेर थंय रोयणीच्या रुपांत सायबिणीचें अस्तित्व आसा. उपरांत मुड्डेर आशिल्ले देवीक गांवांत भितर हाडून तिचें देवूळ उबारलें आनी सयबीणीक कळसाच्या रूपांत पुजपाक लागले.

सायबिणीची खरी मुर्त ही फक्त जात्रा, नवरात्रां, श्रावणी सोमार, कालोत्सव, वर्धापनदीस ह्याच उत्सवांच्या दिसाच भायर काडटात. हेर दिसांनी देवीचो कळस देवळांत आसता.

### 3.2 सात भयणी आनी एका भावाची अद्भूत काणी.

सात भयणी आनी तांचो धाकटो भाव कर्नाटक प्रदेशांतल्यान हत्तीचेर बसून आयलीं. ते पयलीं उत्तर गोंयच्या दिवचल तालुक्यांतल्या मये गांवांत तीं रावलीं. थंय पावतकच सात भयणीं मदली व्हडले महामायेन भाव खेतोबाक लागींच्या बाजारांतल्यान उजो हाडपाक धाडलो. सगळ्यां खातीर जेवण शिजोवपा खातीर तिका चूल स्थापन करपाची आशिल्ली. तरणाटो खेतोबा लागसारच्या बाजारांत उज्याच्या सोदांत गेलो आनी बाजारांतल्या हडबळांत वाट चुकलो. तेन्ना खेतोबान उजो हाडपाक इतलो वेळ कित्याक घेतलो तें

सोदून काडपाक लायराय आनी केळबाय हांकां सांगलें. उजो हाडपाचें काम विसरून भुरग्यां वांगड खेतोबा खेळांत गुल्ल जाला, अशें दोगांय भयणींक दिसलें. लायराय रागान भल्ली आनी तिणें ताचेर लाथ मारली.

लायराय हांणी आपल्या ह्या कृतीचो पश्चात्ताप जालो आनी उज्यांत वचून आपल्या पातकाचें प्रायश्चित करपाची प्रतिज्ञा केली. केळबाईकय ओगीच उबी रावून आपल्या भावाक लाथ मारता तें पळोवन लज आनी गुन्यांवकारपणाची भावना मनात उत्पन्न जाली. तिणेंय तकलेर उजो घेवन चलपाची प्रतिज्ञा केली. निमाणें सात भयणी आनी तांचो भाव गोंयच्या वेगवेगळ्या गांवांत शिंपडून गेले.

लायराय शिरगांव गेली. म्हामाया मये गांवांत गेली. केळबाय मुळगांव गांवांत गेली. मिलाग्र म्हापसा हांगा रावली. मोरजाई मोरजे गांवांत गेली आनी भाव खेतोबा वांयगीणी गांवांत स्थायीक जालो. अजदीपा, अजादिती, सितलाई ह्या भयणींविशीं चडशी म्हायती मेळना. अजादीप आजादीपा नांवाच्या जुंव्याचेर भायर सरली आनी सितलाई सकयल्या वाठारांत ना जाली अशें लोक मानतात. ह्यो सात भयणी  म्हळ्यार गोंयच्या लोकांची एक पोरणी लौकीक याद आसा. तेन्ना वर्साक एक फावट भयणी आनी तांचो भाव एकामेकांक मेळपाक येतात. तांचो मेळावो जात्रेवरवीं जाता.

दर वर्सा वर्सुकी सुवाळ्याचो एक भाग म्हूण एक धोंड (पुजारी) उदकान भरिल्लो कलश आनी मोगरे फुलांचे कळे (लयराय देवीचें प्रतीक) विधीपुर्वक मिरवणुकेंत व्हरतात. देवी भयणींच्या पश्चात्तापाची कृती कायम दवरून भक्त आनी देवी उज्यांतल्यान (होमखाण) वतात. अशे तरेन दोनूय भयणी आपल्या उतराक मान दितात.

### 3.3 लयरायीची बाटिल्ली भयण मिलाग्र देवी

मिलाग्र सायबिण ही लयरायी देवीची एक भयण. ही मूळ मिराबाई देवी अशें मानतात. मिराबईक समर्पीत केल्लें देवूळ मयें हांगा आशिल्लें. पोर्तुगेजानी उत्तरेकडले वाठार आपल्या हातांत घेतलो. ते प्रक्रियेंत मिराबाई देवीचें देवूळ नश्ट जालें अशें मानतात. पूण तिणें भक्तांखातीर अवर लेडी ऑफ मिलाग्रेस हें रूप घेतलें.

हाचे आदीं मिलाग्र हिच्या जात्रे वेळार आपल्या भयणीक देवी लयरायीक भेट म्हणून फुलां धाडटात. लयराय परतून आपल्या भयणीक तिच्या फ्रेस्ता वेळार तेल घडटा. ह्यो भेटवस्तू आयले बगर वयल्यो घडणुको अपूर्ण थारतात.

देवी लयराय आनी मिलाग्र ह्यो भयणी आपल्या उत्सवाच्या दिसा एकामेकांक भेट दितात. तिणें भक्तांखातीर केल्ल्या चमत्कारांक लागून तिका मिलाग्रस हें नांव मेळळें. ह्या भयणींक गोंयच्या, गांवांतले गांवकार ग्राम देवता म्हणून पुजा करतात.

लयराय आनी तिचो भाव खेतोबा हांचे मदीं जाल्ल्या झगड्याक लागून सगळीं भावंडां वेगळीं जालीं अशें म्हणटात. ह्या भयणींक माया अशेंय म्हणटात. ताचो अर्थ पयली आवय असो जाता.

**3.4 देवी लयरायची तळी.**

शिरगांव गांवांत प्रवेश करता थंय एक पवित्र देवीची तळी आसा. पयलीं देवी लयराय थंय येवन बसताली अशीं आख्यायिका आसा. जात्रेच्या दिसानी देवीचे धोंड थंय एका उकत्या सुवातीर पांच दीस रावतात आनी आपणालें व्रत पाळटात. तर कांय लोक आपल्या घरांत वा देवळांत रावतात. अश्या वेळार जात्रेच्या दिसा लयराय देवीचो कळस ह्या तळयेर हाडटात. दनपारच्या वेळार हजारानी धोंड ते तळयेर तिर्थ स्थान करतात तेन्ना दर एका धोंडाच्या कपाळार भट तांदूळ लायता आनी उपरांत ते धोंड होमखणाक प्रदक्षिणा काडपाक तशेंच देवीचें दर्शन घेवपाक  देवळांत वयतात.

ते तळये मदीं देवीचो कळस दवरपाक एक जागो केल्लो आसा. थंय मदीं तो देवीचो कळस दवरतात आनी ताच्या सर भोंवतणी हजारानी धोंड उबे रावतात. इतकेंच न्हय तर रातच्या वेळार होमखणाक उजो घातले उपरांत देवी परतून तळयेर वयता. थंय तिका परतून न्हाणयता आनी उपरांत थंयसून ती मुड्डेर आपल्या पयलींच्या आदिस्थानार वयता.

**3.5 लयराय देवीचे वर्सुकी उत्सव**

लयराय देवीचे जायते वर्सुकी उत्सव शिरगांव गांवांत जातात. लयरायी देवीचो वाढदीस ह्या दिसा देवीची मुर्ती भायर काडून तिची पुजा करता. होम घालतात आनी जायतें विधी थंय चालूच आसतात. तशेंच देवीचो नवो मंगळार आसता तेन्ना देवीची पालकी भायर काडटात. तातूंत देवी लयरायीची मुर्तू आसता. आनी पुराय शिरगांवचो गांव ती भोंवता. इतकेंच न्हय तर त्या दिसा भजनाची बसका जाल्ली आमकां पळोवंपाक मेळटा.

ह्या सगल्या उत्सवाक देवीचे भावीक वांटेकार जातात. जण एकलो त्या दिसा देवीचें दर्शन घेवंपाक शिरगांव येतात. इतकेंच न्हय तर जात्रे आदले दिस लयरायीच्या देवळांत गणपती शारादा म्हूण जाता. तातूंत शिरगांव गांवांतले धोंड नाटक करता आनी फक्त शिरगांवचे धोंड तातूंत वांटेकार

जावंपाक शकतात. तातूंत गणपती, शारदा हाचीं पात्रां आसतात. तर पुराय वर्सा जावपी लयरायी देवीचें (वर्सुकी उत्सव जाणा जावन घेवपा खातीर परिशिश्ट:03 पळयात.)

**संदर्भ**:


1. लयराई देवीचे जात्रेक शिरगांव तयार. भांगरभूंय, 23 एप्रिल 2024.
2. केरकर, राजेंद्र. '*लोकसंस्कृतीतली लईराई' गोमन्तक*, शुक्रवार ता. 6 मे 2019.

# <u>प्रकरण चवथें</u>

## प्रकरण: 4 गोंयांतली नामनेची देवी लयरायची जात्रा

### 4.1 शिरगांवची देवी लयरायची जात्रा

आमचें गोंय ही कलेची आनी संस्कृतीची खाण. ह्या गोंयांत देव-देवतांची सासाय आसा. हांगां गांवागांवांनी काले, जात्रा आनी हेर उत्सव मनयतात. पूण जात्रेची महाजात्रा अशें जिका म्हणटात ती शिरगांवचे आई देवी लयरायची जात्रा. शिरगांव हो सैमान नटिल्लो गांव, शेतां आनी कुळागरांनी सजिल्लो वांठार. श्री देवी लयरायची जात्रा म्हणल्यार गांवच्या लोकांची पर्वणी आनी विवीध गांवांतल्यान जात्रेक येवपी. धोंड आनी भविकांचो आनंदोत्सव.

लयराय देवीची जात्रा म्हणली काय गोंयांतूच न्हय जाल्यार महाराष्ट्र आनी कर्नाटक राज्यांतल्या भाविकांच्या मनांत उमेदीचें ल्हार फांकता. अग्नीदिव्य साकारून साक्ष दिता. मोगरेचे कळे देवीक ओपपाक भावीकांची धडपड आसता. वर्साचो राखणेचो कौल देवीन दिवचो अशी आस्त लोक मनात बाळगितात. दर वर्सा वैशाख शुद्ध पंचमी दिसा शिरगांवांत श्री लयराय देवीची धोंडाची जात्रा जाता. गोंयांत गुडी पाडवो ह्या दिसा सावन धोंडांचें व्रत सुरू जाता. कोंकणांतले लोक हे लयरायचे जात्रेक आकर्शीत जातात. सादारण कश्ट करपी, जाती मदीं शिपडील्ल्यां लोकांक भक्तींतल्यान

एकचाराच्या धाम्यांत बांदून दवरपी ही जात्रा. पुराय गोंय आनी भोंवतणचो वाठार हया अपूर्व दिसाची वाट पळयतात.

लयराय देवीचे भक्त वैशाखाच्या पयल्या दिसा सावन न्हंयचे देगेर, तळये लागीं, देवळा लागसार आशिल्ल्या सुवातेर उपासाचें व्रत सुरु करतात. सोरो, मांस आनी नुस्तें खवपाचें टाळटात आनी पांच दीस कडक उपास धरतात. हें धोंड जेवचे खांवचे पयलीं न्हातात आनी खाल्ले वा जेवले उपरांत परत स्थान करातात. भश्टकार जाल्यार वा आफुडल्यार न्हावपाची चाल आसा. मुळगांवां पेठेचीं जात्रा, मयें हांगासर माल्याचीं जात्रा, म्हापशांत मिलाग्रस सायबीणीचें फ्रेस्त जाल्या उपरांत शिरगांवा धोंडाचीं जात्रा जाता.

गांवचे भक्त शुक्ल पंचमी दिसा धोंड शिरगांवा येवन देवीचें दर्शन घेतात. पारंपारीक भेसांत रंगीत धोती हातांत रंगयाळ्या गोंडानी सजयल्लें बेत घेवन आनी गळ्यांत मोगरेच्या कळ्यांच्यो सुंगधी माळो घालून होमखणांतल्यान ते चलत वचपाचो अणभव घेतात.

जशे दादले लायरायचे धोंड म्हणून वांटो घेतात, तशेंच बायलोय कोळशाचेर उक्त्या पांयांनी देवीचेर श्रध्दा आनी भक्ती दवरून चलपाचें धाडस करतात. देवीची म्हयमा आमकां धालो आनी फुगडी ह्या लोकगीतां वरवीं उक्तायल्ली पळोवंपाक मेळटा. लायरायचे आवय वांगडा हेर स भयणींक नमस्कार

करतात. शिरगांवची अधिष्ठात्री लयराय ही गोंयचो बहुजन समाज आपली व्हड आवय मानतात. ह्या कारणांक लागून वैशाखच्या गिमाच्या दिसांनी भक्तांक तिच्या उपासाच्या पांच दिसांचें बळगें मेळटा.

**4.2 लयरायचें जात्रेक भाविकांची गर्दी.**

लाखांनी भाविकांची श्रध्दा आशिल्ल्या शिरगांवच्या श्री देवी लयरायच्या जात्रे निमतान गोंय राज्यांतले हजारांनी धोड तशेंच मोट्या संख्येन भावीक गर्दी करतात. अस्नोडा ते शिरगांव हो रस्तो पुराय गर्देन भरता. सकाळीं धोड भक्त पवित्र तळयेर न्हाण घेतात आनी मागीर देवीचें दर्शन घेतात. तशेंच सकाळचे हजारांनी भावीक होमकुंडाक लाकडांची मोळी ओपतात. देवळांत सभाघरांत परंपरीक पद्दतीन धोड हातांत बेत घेवन धोलाच्या तालार नाचतात.

ह्या व्रतांत ल्हान भुरग्यां पासून ९० वर्सां पिरायेच्या गटांतले धोंड वांटेकार जातात. देवीक मोगरेचे कळे ओपपाची व्हड परंपरा आसा. ताका लागून फुलां विकपी विक्रेते हांगां मोठे संख्येन जमिल्ले आसता. देवळांत देवीचें दर्शन घेवन जण एकलो भावीक आनी धोंड देवीक ह्या वेळार मोगरेचे कळे ओंपता.

हे जात्रेक खाज्याचे मांड, पेय  आनी फळाराचीं दुकानां, आयदनां आनी खेळण्याची दुकानां, कपडे, तशेंच घरांत ल्हान व्हड वापरपाच्या वस्तुंचीं दुकानां वेपारी हांगा थाटतात. हे जात्रेच्या निमतान सर्वसामान्य लोक तशेंच भावीक मोठ्या प्रमाणात ह्यो वस्तू विकत घेतात. हे गजालीक लागून देवीचे जात्रेक वेगळीच सोबाय येता.

### 4.3 लयराय देवीचें होमखण

देवी लयरायच्या होमखणाक लागून शिरगांवची जात्रा नामनेक पावल्या. शिरगांवचे जात्रे वेळार होमखणांतल्यान चलप ही एक व्हड परंपरा. शुद्धीकरण आनी वायटाचेर बऱ्याचें जैत मेळोवपाचें तें एक प्रतीक. तप आनी देव भक्तीची कृती म्हणून हे धोंड अनवळ्या पांयांनी पेट्ट्या इगळ्या वयल्यान चलतात. आपली श्रध्दा सिध्द करपाचो आनी देवते कडल्यान आशिर्वाद घेवपाचो हो एक मार्ग अशें म्हणून ते हे परंपरेकडेन पळयतात. हो देखाव पळयतना जण एकलो मंत्रमुग्ध जाता.

ह्या उत्सावच्या अध्यात्मीक वातावरणांत भर घालता. सुमार 50 हजार धोंडा सयत हजारांनी भक्त ह्या जात्रेक हाजीर रावतात. मोगरी आनी चाफ्याच्या फुलां पासून तयार केल्ल्यो फुलांच्यो माळो  भक्त गळ्यांत घालतात. उपरांत

फांतोडेर जेन्ना धोंड होमखणातल्यान वयता तेन्ना “बोला पुंडलीक वरदे हरी विठ्ठल, पार्वती पते हर हर महादेव. सीता कांत स्मरण जय जय राम. श्री गुरुदेव दत्त, श्री लयरायी माता की जय” असो लयरायचो गजर म्हणत होमखंड पार करपी धोंडाक पळोवंपाक हजारानी भावीक थंय उपस्थित रावतात.

लयराय देवीचे होमखण 4X6 मिटर इतके उंच आनी रुंद आसता. मये गांवांत श्री लयरायी देवीचें कावळ्याचें रान आसा. थंयची सुवात देवीक दिल्ली आसा. थंयसून होमखणाक लागपी सगळीं लाकडां हाडटात. इतकेंच न्हय तर भावीक आपल्या आंगवणेच्या रूपान होमखणांत लाकडांचे भरे घालतात. होमखण दाळटाना सगळ्यांत मोठीं लाकडां आसता तीं पोंदा घालतात. ताच्या वयर मातशीं बारीक लाकडां दाळटात. आनी सगळ्यांत वयर देवीक अर्पण केल्ले लाकडाचे भरे दाळटात.

हें होमखण दाळपाचें काम देवीचे चौगुले आनी शिरगांव गांवचे धोंड करतात. तशेंच जात्रे दिसा रातच्या 12 वरांचेर देवीचो मोड जो लयराय देवीचो कळस माथ्यार घेवन भाराच्या नेटार धांवत होमखणाकडेन येता आनी फक्त एक चंद्रजोत पेट्टोवन त्या होमखणाक लायता. आनी कांय वेळान  तें होमखण अग्नीचो पेट घेता.

होमखण पेटल्या उपरांत देवीचे धोंड होमखणाक पांच प्रदक्षिणा काडटात. आनी फांतोडेर न्हावन देवीचो कौल घेतल्या उपरांत सगले धोंड त्या अग्नीतल्यान चलत वयतात. निमणो देवीचो वेळ जालो काय ती नाचत अग्नीदिव्य पार करता. हांच्या फाटल्यान मागीर कोणाकूच ह्या होमखणांतल्यान वचपाक मेळाना.

**4.4 श्री देवी लयरायचो कौल.**

लयराय देवी होमखणांतल्यान गेल्या उपरांत ती रवळनाथाच्या देवळांत वयता. थंय ती कांय वेळ विसव घेता. उपरांत थंयसून ती मानस वाड्यार वचपाक भायर सरता. तेन्ना थंय वयतना वाटेक तिका रवळू घट्टानाचें घर मेळटा. तेन्ना ती थंसून आपणाले दोळे बंद करून त्या घराचेर नदर लेगीत घालिनास्तना धांवत मुखार वयता. हो देवीचो प्रसंग पळोवपा खातीर लोक व्हडा संख्खेन थंय गर्दी करतात. उपरांत ती सगल्या घरा घरानी कौल दीत पुराय शिरगांव गांव भोंवता.

दर एका घरांतलो मनीस पयलीं तिच्या कळसाची पुजा करतात. देवी त्या घरांतल्या लोकांक पयलीं कौल दिता आनी उपरांत उपस्थित लोकांक. कौल पांच दीस लयराय देवीचो कौल उत्सव चलता. देवीच्या कळसा वांगडा 35

चौगुले आसतात. ते सगले उकत्या पांयांनी देवी वागंडा भोंवतात. तांका देवीचें मानकरी अशेंय म्हणटात. पांचव्या दिसा तिका नाचयत देवळांत व्हरतात.

हजारानी भावीक, भक्तगण देवीचो कौल घेवपाक शिरगांव गर्दी करतात. वर्सांची राखण म्हूण दर एकल्याक लयरायी देवी आपणालो आर्शिवाद म्हूण मोगरेचे वा कुड्याचीं फुलां कौल म्हूण दितात.

हांचे फाटलें कारण म्हळ्यार येता तें तांचें वर्स  बरें वचचें आनी तांच्या जिणेंत सुख- समृधी मेळप. देवीच्या कळसाची विधी म्हळ्यार ज्या घरांत ती वयता, थंय घराचो मुखेली देवीच्या कळसाची पुजा, आरती करता आनी घरांतलीं बायल मनशां तिच्यो होटीयो भरतात.

## 4.5 लयराय देवीच्या धोंडांची देवीविशीं आशिल्ली भक्ती

1. **संतोष नायक:** पिरायेच्या 15 व्या वर्सा सावन धोंड रावता. म्हजी पिराय आतां ६२ वर्सां आसा. एक म्हयन्या पयलीं, गुडी पावडव्या पासून आमकां धोंडांक कांय खावपाक मेळाना. देखीक चिकन - मटण आनी तांतयां. कांय जाण नुस्तें लेगीत खायनात. एक म्हयनो पुराय

शाकाहारी रावचें पडटा. जात्रे पयलीं पांच दीस आमी घरा पासून पयस रावतात.

घरा नितळसाण दवरची पडटा. जर कोणेय हात लायलो जाल्यार परतून न्हावचे पडटा. जात्रेच्या आदल्या दिसा  सगळ्यांक फळार आसता. ओले कपडे घालून तो फळार खांवचो पडटा. हेर कुटुंबांतले व्यक्ती आमकां धोंडांक मोगरे कळे विकते घेवपाक पयशे दितात.

2. **नरेश पवार:** हांव मुळगांव गांवचो रहिवासी. फाटलीं 21 वर्सां हांव लयराय देवीचो धोंड म्हूण व्रत धरतां. म्हज्या मतान जात्रेचें म्हत्व म्हळ्यार आपूण सक्षम आसपाक जाय. देवी लयरायची सेवा करपा खातीर, तिचे भक्त जावन, धोंड जावन, तिची आमी सेवा करपाक जाय. कांय धोंड रावपाची प्रतिज्ञा करतात. लायरायीक बरी भलायकी दवर वा आपली इत्सा पुराय कर, असो आशीर्वाद मागतात. म्हज्या आवयन म्हाका धोंड दवरपाची आंगवण केल्ली. कारण, हांव भुरगेपणांत परतून परतून दुयेंत पडटालों. ह्या कारणांक लागून हांव आयज देवीचो धोंड जावपाक पावलों. आतां हांव बरों आसा.

3. **गोंवीद गांवस:** हांव अस्नोडा गांवचो रहिवासी आसून 30 वर्सां पिरायेचेर  देवीचो धोंड रावलां. भुरगेंपणांत हांवें बापायक धोंड रावतना पळयल्लो. उपरांत ताचो बापुय रमाकांत गांवस (आजो) भायर पडले उपरांत बापायच्या जाग्यार हांव धोंड रावतलों अशें थारायल्लें. आयज हांव लयराय देवीचो धोंड म्हूण दर वर्सां व्रत करतां. देवीचेर श्रध्दा दवरून तिचें व्रत पाळप हो एक बरो अणभव घेवपाक मेळटा. जात्रेच्या दिसानी देवीचें नामस्मरण करप हातूंतल्यान मनाक  धादोसकाय मेळटा. त्या वेळार कसलोय तणाव आसलो जाल्यार तो थंयचा थंयच ना जाता. फक्त देवी लयरायीचेर मनांतल्यान श्रध्दा दवची पडटा.

4.  **चंद्रकांत चोडणकर:** हांव अस्नोडा गांवचो रहीवासी फाटलीं 60 वर्सां लयराय देवीचो धोंड रावता. म्हज्या घरांत म्हजे पांच भाव आसात ते लेगीत पयलीं पासून धोंड रवतात. घरांतले जाणटे धोंड आशिल्ल्यान तांच्या भुरग्यानी धोंड रावचें अशें चिंतून म्हाका धोंड दवरलो. म्हज्या घरांतली जी चाल आसली देवींचें धोंड रावपाची ती चालूच उरपा खातीर हांव धोंड रावलां. धोंड रावलां तेन्ना सावन म्हज्या जिणेत त्रास हे केन्ना पळोवंक नात. कितेंय आसलें तरी कांयच न्हू अशीं कामां जातात. भुरग्याचें लेगीत कसलेच त्रास म्हाका

जायना. हांसत खेळत म्हणटा तशें पुराय ६० वर्सां देवीचे व्रत पाळळें हांचे फळ म्हाका मेळटा.

5. **रूची डीचोलकर:** हांव उसगांव गांवचें रहीवासी. फाटली 5 वर्सां लयराय देवीचे धोंड रावतां. म्हज्या आवयन म्हाज्या पायांच्या ऑपरेशना वेळार देवीकडेन आंगवण केल्लीं. हांव बरे भशेन सारकें जालें उपरांत म्हाका देवीचे धोंड दवरतलें. तेन्नासावन हांव देवीचें एकवाद मनातल्यान पाळटां, आनी देवीच्या होमखणांतल्यान वयतां. हांच्या उपरांत म्हजे जिणेंत बरें दीस आयलें अशें म्हाका जाणावता.

**संदर्भ:**


1. देवी लयरायीचो इतिहास, शिरगांव, श्रीपाद जोशी, 28 ऑगस्ट 2023.
2. लयरायी देवीचे व्हडपण, जात्रा हेमखण कौल, शिरगांव, अरूण गांवकार,15 सप्टेंबर 2023.
3. लयरायी देवीच्या धोंडाचें व्हडपण, शिरगांव, गजानन च्यारी, 2 ऑक्टोबर 2023.

4. लयराय देवीचे चौगुले, शिरंगांव, नितीन शिरगांवकर, 5 जानेवारी 2024.

5. लयरायीच्या जात्रेचें म्हत्व, शिरगांव, जितू शिरगांवकर, 15 जानेवारी 2024.

# <u>प्रकरण पाचवें</u>

## प्रकरण: 5 श्री लयरायी देवीचो उल्लेख आशिल्ले मौखीक आनी लिखीत साहित्य.

पयलींच्या वेळार जेन्ना लिखीत साहित्य नासलें, तेन्ना घरांतल्यो बायलो आपणालीं कामां करताना तोंडातल्यान धालो आनी फुगडी गितां घडयतालीं. तांची तीं फुगडेचीं आनी धालोचीं गितां पिळग्या पिळग्या मेरेन पावतालीं. आपणाले साहित्य फक्त कागदार बरयल्लें म्हूण तें उरता अशें ना. मौखीक गितां लेगीत एका पिळगे कडल्यान दुसरे पिळगे कडेन पावतात आनी ताची परंपरा नवी पिळगी मुखार व्हरता. तांच्यो हीं फुगडेचीं गितां आतां माचयेर लेगीत सादर जावपाक लागल्यांत.

फुगडी तशेंच धालो गितांनी देव देवतांचो उल्लेख केल्लो आमकां पळोवंपाक मेळटा. थळावी कुळदेवता, ग्रामदेवता तशेंच आराध्य देवतांचे उल्लेख ह्या गितांनी आयकूंक मेळटात.

श्री लयराय देवी जरी शिरगांव गांवची आसली तरी हेर गोंयांतल्या वाठारानी धालो गितांनी तशेंच फुगडी गितांनी हे देवीचो उल्लेख आशिल्लो पळोवंक मेळटा. ह्या कारणांक लागून ही देवी कितली लोक मानसांत घर करून बसल्या ताची जाणीव जाता. तशेंच आयच्या ह्या आधुनीक काळार लिखीत गितां, अभंग, कविता, आरती रचिल्ल्यो आसात. तांचे ध्वनी मुद्रण करून तशेंच व्हिडिओ करून समाज माध्यमांचेर आमकां आयकूंक आनी

पळोवंपाक मेळटात. लोकमानसांत श्रध्दा करून आशिल्ल्या गोंयच्या देव देवतांचेर बरयल्लें साहित्य आयज वेगवेगळ्या माध्यमानी उपलब्ध आसून श्री लयराय देवीचो हांगां अग्रक्रम आशिल्ल्याचें जाणवता. हे रचने भायर तिच्या साबार भक्तानी आनी अभ्यासकानी गद्य लेखन केल्लें आसा.

हें गद्य लेखन गोंयांतल्या कोंकणी आनी मराठी दिसाळ्यानी केल्लें आसा. ह्या लेखनातल्यान लयराय देवीची म्हयमा, तिचें व्हडपण आनी उल्याक पावपी देवी म्हण तिची गणना केल्ली मेळटा.

## 5.1 फुगडी

### 5.1.1 देवी लयरायची फुगडी

शिरगांवा घाटयेर घाटी एक फुलला नागुलकूडा एक फुलला नागुलकूडा.॥२||

फुलला नागुलकूडा लयराय आईच्या सतवाने लयराय आईच्या सतवाने. ||२||

लयराय म्हाजी आई, आई तळयेर न्हांवूक गेली आई तळयेर न्हांवूक गेली.॥२||

तळयेर न्हांवूक गेली आई ओल्यानी आकुडली आई ओल्यांनी आकुडली.॥२||

ओल्यांनी आकुडली आई न्हेंसली पितांबर आई न्हेंसली पितांबर मिरयो सोडील्यो हजारभर मिरयो सोडील्यो हजारभर.॥२||

मिरयो सोडील्यो हजारभर, आई बैसली मखरांत बैसली मखरात. ||२||

असा कापिला चंदनवृक्ष कापिला चंदनवृक्ष त्यांचे दाळीले होमखंड, दाळीले होमखंड.॥२॥

तितूर उडयलो मोगरे कळो तेतूर उडयलो आबोल्या झेलो. ॥२॥

उडयलो मोगरे कळो आईन पेटयली चंद्रज्योत.॥२॥

लयराय म्हाजे आई तुजे जत्रेला किती लोक तुज्या जत्रेला किती धोंड.॥२॥

शिरगांवा घाटयेर घाटी एक फुलला नागुलकूडा एक फुलला नागुलकूडा.॥२॥

**बरोवपी: निर्मला शिरगांवकर**

निर्मला शिरगांवकर ही मुळगांव गांवची रहिवासी. ती सरकारी प्राथमिक शिक्षीका आसा. ती एक लोक कलाकार, भजनी कलाकार म्हणून तिका वळखतात. बरोवपी आपले फुगडेंत म्हणटा की देवी लयरायीच्या आर्शिवादान फुल्ला एक नाग कुडो आनी तो फुल्लो तेन्ना लयराय देवी आपणाल्या सातय भावडांक घेवन येयली. बरोवपी देवी लयरायीचेर श्रध्दा दवरून म्हणटा, लयरायी देवी म्हजी आवय. ती शिरगांवचे तळयेर न्हावन गेली.

तेन्ना थंय ती सारकी 'आकुडलीं' अशें म्हणटा. पांचव्या रंगाची साडी ती न्हेसल्या. ते न्हेसून ती मखरांत बसली आनी जात्रे आदीं देवीचें होमखण दाळून तातूंत तिणें एक मोगरेचो कळो उडोवन अग्नीद्रीव्य पेटोवन दाखयलें. तिच्या जात्रे वेळार हजरानी धोंड, भावीक तिचें दर्शन घेतात. पयसुल्ले लोक लेगीत घाट हुपून देवीचें दर्शन घेवपाक येतात अशें ह्या फुगडेंत वर्णन केलां.

### 5.1.2 माझे ग दारी गुलाब फुलला

माझे ग दारी गुलाब फुलला
वास किती दमदमला ग बाई
नारी वास किती दमदमदला
सात भयणांचा खेतोबा भाऊ
वांयगणी घेतला गांव गे बाई
नारी वायंगिणी घेतला गांव
माझे गे दारी मोगरी फुलल्या
वास किती दमदमला ग बाई
नारी वास किती दमदमला
सात भावणांची लयराची भयण,

सात भावणांची लयराची भयण

शिरगांवा घेतला गांव गे बाई

नारी शिरगांवा घेतला गांव

माझे गे दारी आबोली फुलल्या

रंग दाही दिशा भरला ग बाई

नारी रंग दाही दिशी भरला

सात भावणांची केळबाय भयण

बरोवपी: निर्मला शिरगांवकर

ह्या फुगडेंत बरोवपी सांगता की आपणाल्या दारांत गुलाब फुल्ला आनी तांचो परमळ खूब पयस मेरेन पावला. त्या वासांत सगळो वाठार दमदमला. तांच्या भावान वांयगीणी गांवांत रावचें थरयलें अशें बरोवपी म्हणटा. तर ती परतून म्हणटा की आपल्या आंगणांत मोगरेचे कळे फुल्ल्यात आनी सात भयणी मदली एक भयण शिरगांव गांवांत रावपाक गेल्या. आपणाल्या आंगणांत आबोली फुल्ल्या. आनी सात भावणांची केळबाय भयण मुळगांवात येवन बसल्या. अशें तरेन ह्या फुगडे गितांत लयराय, भाव खेतोबा आनी भयण कळेबाय हांचें वर्णन केल्लें आसा.

## 5.2 धालो

धालो हो वनदेवतेचो उत्सव. आमचें पालन पोशण करपी धरतरीमायेचो उत्सव अशी लोकमान्याताय आसा. धालो गीत तुळशीवृंदावनाच्या निर्मितीचें आनी तिच्या पुजनाचें व्हडपण सांगता. धालो बाये धालो गे धालांनी खेळूंक येयात गे.. असो साद धालो खेळपी बांयलां एकामेकांक घालतात. आमच्या गोंयांत धालो खेळपाची मोठी परंपरा आसा. पूण आयची नवी पिळगी हे परंपरे पासून पयस वचत आसा.

### 5.2.1 पान म्हजे फोफळ तुजे

चुनाळ कोणालागीं आहे गे

भुमिका देवी पान खायी

चुनाळ तिच्या लागीं आहे गे

पान म्हाजे फोफळ तुजे

चुनाळ कोणालागीं आहे गे

शांतादूर्गा देवी पान खायी

चुनाळ तिच्यालागीं आहे गे

पान म्हजे फोफाळ तुजे

चुनाळ कोणालागीं आहे गे

लयराय देवी पान खायी

चुनाळ तिच्यालागीं आहे गे......

आमकां ह्या धालाच्या पुस्तकांतल्यांत वयल्यान जाणावता की धालो गितांनी लेगीत देवी लयरायचे नांव घोळट आसा. फक्त फुगडी, अभंग, आरती, कवितानीच न्हय तर धालोनी लेगीत आमकां देवी लयरायीचो आस्वाद मेळटा. ह्या धालो भितर जायत्या देवीचीं नांवां घेतल्यांत देखीक शांतादूर्गा देवी पान खायी चुनाळ तिच्यालागीं आहे गे. पान म्हजे फोफाळ तुजे चुनाळ कोणालागीं आहे गे. लयराय देवी पान खायी चुनाळ तिच्यालागीं आहे गे... अश्या तरेन ह्या मुळगांव गांवच्या धालो गितांत देवीचो उल्लेख येता.

### 5.2.2 घाटाची लयरायी गे बाबडी

कोंकणा देवली लयरायी गे

कोंकणा देवली.

कोंकणा देवली लयराय गे

काजळ कुंकमाची लयराय गे

काजळ कंकमाची

घाटाची लयरायी गे बाबडी

कोंकणा देवली

कोंकणा देवली लयराची गे

फुलां मोगऱ्याची लयरायी गे

फुलां मोगऱ्याची

घाटाची लयराची गे बाबडी

कोंकणा देवली गे बाबडी

कोंकणा देवली

- नंदा गांवकर

(शिरगांव गोंय)

ह्या धालो गितांतल्यान आमकां जाणावता की देवी लयरायी घाटा वयल्यान गोंयांत येयल्या. हांचो संदर्भ ती आपल्या धालो गितां भितर घेता. तशेंच ती म्हणटा काजळ, कुंकम लावन देवी लयरायी घाट हुपून येवन कोंकणात देवली. तर मोगऱ्याचो तिकां खूब ध्यास अशें ह्या धालो गितां भीतर तिणें सांगला. तर हे तिचें धालो गीत प्रकाशीत जावंक ना, तर ते मोखीक गीत तिणें घडयल्लें आसा.

## 5.3. गीत

संगीत रचना म्हळ्यार गीत. मधूर आवाज आनी वादयांचो वापर करून गीत सादर करतात. गितांत विभागांची पुनरवृत्ती आनी बदल हांचो आस्पाव आशिल्लें तें वेगवेगळें रूप आसता. हांगांसर आमकां त्या गायकाची चाल पळोवंपाक गावता. गीत म्हणटना ताणें कसले कलेचो वापर केला. हे आमकां आयकुपाक मेळटा. तर कसलें एक काव्य घेवन त्या काव्याक चाल लावप आनी त्या तालार आनी सुरार म्हणप हे तितलेंच म्हत्वाचें आसता. आनी दर एका गायकान हांची नोंद घेवप गरजेचें आसता.

### 5.3.1 आई लईराई

संकटात पावता गे

उल्याक म्हजा धांवता गे..

तानेल्या जिवाक म्हज्या

झरो जावन गावता गे

ममतेची महा मायी लयराई माझी आई

शिरगांव मूळ तुजें

आख्खें गोंय कूळ तुजें

धोंडांच्या हातांत आसा

भक्तीचें त्रीशूल तुजें

शक्ती तुजी अनवळी

लयराई म्हाजी आई

कळसान तूं बसल्या

मोगरे तूं म्हटल्या

चैतन्याचे लास जशें

होमखणांत सजलें हें..

बरोवपी:डॉ. हनुमंत चोपडेकार

गावपी: अक्षय नायक

ह्या गितांत आमकां कविची भावना दिशी पडटा. कशे तरेन तो देवी लयरायीक पळयता हें कळटा. इतकेंच न्हय तर गीत बरयतना देवीच्यो कसल्यो गजाली तो आपणाल्या गिता भितर मांडपाक सोदता हें कळटा. लेखक म्हणटा की संकटात तूं पावता, उल्याक आमच्या पावता. जर कसले त्रास जाले जाल्यार तूं झरो जावन धांवता. सगल्याची आवय कशी ममताची महामाया ती अशें लेखक म्हणटा.

शिरगांव हो देवी लयरायी तुजो गांव पूण हे आंख्ये गोंय तुजें कूळ अशें तो म्हणटा. तर दर एक धोंड जो आसा तो देवी लयरायीचे बेत हातांत घेवन

नाचतना दिशी पडटा. देवीची शक्ती आमी दर एका मनशान अणभवल्या. तांब्या कळशांत बसून पुराय संवसार तुवें राखला हे आमकां कवी सांगपाचो यत्न करता. तर दर एक गिताचो शब्द कवीन देवी लयरायीक ओपला हें आमकां तांचें गीत वाचले आनी आयकलें उपरांत जाणवता.

### 5.3.2 लयरायीचे धोंड आमी

सेवेक तिच्या आयल्या

कृपा कर गे सायबीणी

भक्त तुजे आयल्या

सोबता गळ्यांत तुज्या

मोगऱ्यां कळे पाळटा सोवळे

आमी भक्त तुजे

धोंड करी पार तुजे पेट्या होमकणी

जात्रेचो तो खीण माय तुजो चमत्कार...

बरोवपी: महादेव गांवकर

(होंडा सत्तरी)

ह्या अभंगातल्यान आमकां बरोवपी महादेव गांवकार लयरायचें व्हडपण सांगता. लयरायीचे जे धोंड आसात ते देवीची सेवा करपाक आयल्यात. जात्रेच्या वेळार धोंडाचेर कृपा कर अशें कवी विनयता. तांचेर कसलेच त्रास आनी अडी अडचणी आयल्यार तें तूं पळोवन घे अशें सांगता. कवी म्हणटा मोगरेचे कळे देवी लयरायीचेर सोबतात. दर एकलो धोंड देवीचे पाळटा सोवळे. पेट्ट्या होमखणांतल्या अग्नीदिव्यांत प्रवेश करतात. होमखणांतलो प्रवेस होच तुजो चमत्कार अशें कवी अधोरेखीत करता.

### 5.3.3 माझी लयराई

शिरगांवची अंबाई,

आदी शक्ती तूं आई

सुंदर कळशा सोबीत ती

माय म्हजी लयरायी,

म्हजे आई ... म्हजी लयरायी

कलश रुपी दारीणी तूं आदी मायी गे आई

जगंदबे विश्वरूपी, माय म्हजे लयरायी

गोमन्तक जननी, हरी हरता हरीणी

सैम रूपी सैम रूपी, माय म्हजी लयरायी.

बरोवपी: ओमकार केळकर

शिरगांवची देवी लयरायी तिकां अंबाई अशें कवी म्हणटा. आदी शक्तीची ती आई आसून तांब्या कळसांत ती बसल्या. सगल्यांची देवी लयरायी. सगळ्या गोमन्तकाची जननी देवी लयरायी, सैम रूपी माय म्हजी लयरायी. दर एका भक्ताक ती एका उल्याक पावता. अशे तरेन तिचें वर्णन हांगां करतां. कवी तिका अंबाई , आई, दारीणी, जगदंबा हरीणी, सैम रूपी अशें संबोधता.

## 5.4 आरती

देव देवतांचें वर्णन आनी तांचें व्हडपण आरतींत केल्लें पळोवंक मेळटा. ह्यो आरती देवतां मुखार चाल बध्द रितीन गायतात. वेगवेगळ्या वाठारांनी आरती वेगवेगळे तरेन गायतात तरी ताचो मुळावो हेतू केन्नाच बदलना. परंपरे प्रमाण श्रध्दा आनी भावना दवरून देवाची पुजा करप हो उपासनेचो प्रकार. आरती ह्यो पारंपारीक स्त्रोत्र आसा. भक्तीगीतां गायन हे दोनूय

प्रकार उपासकांची एकाग्रताय कृतींतल्यान आसची होच ताचे फाटलो हेतू आसता.

वैदीक देवांच्यो आरती बरयल्ल्यो मेळटात. पूण स्थालीन थळाव्या देव देवतांच्यो आरती बरयल्ल्यो आनी गायल्ल्यो मेळनात. भक्तगण तशेंच देव देवतांची भक्ती करपी लेखक थळाव्या देवांचो आरती बरयतात आनी गायतात.

ह्या अनुशंगान देवी लयरायीचेर जायत्यो आरती बरयल्ल्यो आमकां आयकूंपाक मेळटात. इतलेंच न्हय तर देवीच्यो आरती सगल्या गोंयांत फामाद जाल्यात. भावीकांची उमळशीक आमकां हातूंतल्यान पळोवंपाक गावता. दर वर्सा नव्यो नव्यो लयराय देवीच्यो आरती बरयतात आनी गायतात. ह्यो आरती घुमटाचेर तशेंच तबलें आनी हार्मोनीयमाच्या सांगातान मधूर आवाजान गायतात.

### 5.4.1 जगत जननी लयरायी

घाट हुपूनी वाट मापुनी,

माय शिरगांवी आली.

रूप ब्रामणी कलस रूपीणी

आई म्हाजी लयरायी.

पांयाक पयजण ग बांदुनी

चुडा हीरवा ग चडूनी

हातात रिदयीत ठेऊनी

आई कळस रूपीणी

बरोवपी: सान्वी खांडेपारकर

लयरायीचे हे आरतींतल्यान आमकां जाणावता की कशे तरेन देवी लयराय घाट हुपून गोंयांत शिरगांव गांवांत पावली. तिका पळोवन ब्राम्हणीचें रूप दिसतालें. देवी लयरायीक कळसाच्या रुपान पुजतात अशें बरोवपी म्हणटा. आपणाल्या पांयांत पांयजणां आनी हातांत हिरोवो चुडो घालून, काळजार हात दवरून लयराय देवी आमची बसल्या. हाचें वर्णन हें आरती भितर केलां.

### 5.4.2 होमखणातूनी चालता

न लागे मझ निखारा

देवी तुझा गे आसरा

जय देवी जय, लयरायी माते

आरती ओवाळीन तुझ हे विधाते

जय ग्राम देवते,जय जय कुळनाथे

जय ग्राम देवते, कलश स्वरूपिणी

शिरोग्रामीणी, गोमन्तक तारीणी

तू माते गोमंतक तारीणी.

बरोवपी: श्री सूरज पींगे

हया आरतींतल्या आमकां जाणावता की देवी लयरायी जी आसा ती आनी तिचें धोंड पेट्या होमखणांतल्यान चलत वयतात. तेन्ना देवीचे कृपेन तांकां कसलेच त्रास जायनात.

हातूंतल्यान आमकां देवी लयरायीची महिमा आनी तिणें केल्लो चमत्कार पळोवंपाक मेळटा. दर एका भक्तगणांच्या तोंडार फक्त देवी लयरायीचें नांव आसता. कळसाच्या रूपांत बसून देवी सगल्यांची राखण करता अशें लेखक म्हणटा.

## 5.5 कविता

कविता बरोवपाचो हेतू वेग वेगळो आसता. वेग वेगळ्या रूपानी बरयल्ल्यो कवीता आमकां वाचपाक मेळटात. लेखक हातूंतल्यान आपणाली काव्य कृती दाखयता. कांय उतरां वा वाक्यां भितर आपणाली कविता कशी जातली हाचेर लेखक भान दवरता. कसलोय एक विशय आसा जाल्यार तो आपणाले कवितेंत कसो हाडपाचो हांची खंत ताका आसता. वेग वेगळ्या प्रकाराची कविता कवी बरयतना आमकां  दिश्टी पडटा.

कवी आपणाल्या मनातले विचार कवितेच्या रूपान सगल्या मेरेन पावोपाचो यत्न करता. आपणाली भावना, कवी आपले कवितेंत व्यक्त करता. देव ही संकल्पना दोळ्यां मुखार दवरून भक्ती भावान कविता लेखन जाता. देखीक दामोदर, कामाक्षी देवी, म्हाळसाय, देवी केळबाय, सांतेरी ह्या देव देवतांचेर कविता लेखन जाल्ले संदर्भ मेळटात.

लयरायी देवीचेर कविता बरयल्ल्यो देखीय आसात. जाका बरोवपाची उमेद आसा तो आपणाल्या शब्दानी देवी लयरायीचेर कविता बरयता. आपल्या ह्या कवितांतल्यान कवीन देवीचें व्हडपण, तिची म्हयमा, तिचें स्मरण करतकच मनाक मेळपी शांती कविनी अधोरेखीत केल्ली आसा.

### 5.5.1 आई म्हजी लयराई

शिरगांवच्या गांवांत वसल्या, आई म्हजी लयराई

धोंड भक्तगणांच्या भक्तीची, करता ती अपुरबाय

शिरगांवच्यान गोंयभर, दिव्य तेज परजळटा

मखराच्या रूपान कळस रूपी आई लखलखता

मोगरेच्या कळ्यांनी आई म्हजी गे नटल्या,

शिरगांवच्या गांवांत आई, म्हजी वसल्या

पाव गे आई भक्तगणांक, धांव गे आई उल्याक

खिणाखिणाक, सासाय तुजी आसुंदी

भक्तीचें नातें हें अशेंच संदाकळ फुलुंदी

- अंकिता नायक देऊलकार

हे कवितेंतल्यान आमकां जाणावता तें म्हणजे कवी म्हणटा की लयराय देवी शिरगांवच्या गांवांत येवन वसल्या. आनी देवी आपल्या सगल्या भक्तगणांची खूब आपुरबाय करता. इतकेंच न्हय तर शिरगांवची देवी लयराय पुराय गोंयभर प्रसिद्ध आसा हें आमकां हे कवितेंतल्यान जाणावता.

देवी लयरायीक कळसाच्या रूपान पुजतात. अशें बरोवनी म्हणटा. देवीक मोंगरेच्या कळ्यांची खूब आवड. तर दर एका भक्तगणांक ती एका उल्यार पावता. सगल्यांची राखण करता. ही देवीची भावना आनी तिचेर आशिल्लो भाविकांचो विश्वास असोच उरचो अशें कवयत्री आपणाले हे कवितेंत सांगता.

### 5.5.2 आई म्हजी लयराई

कळजांत म्हजे तूं गे आई, पडटा पांया तुजे लयराई

पळोवन रूप तुजें दोळ्यांनी, तल्लीन जालों तुज्या भजनानी

मन प्रसन्न जाता दर्शन तुजें घेतां, दीस रात तुजो

जप हांव करतां संकश्टा वेळार सदांच,

आमकां गे पाव, ओठां आमच्या घोळूं नित्य तुजें नांव,

आळयतां तुकां, तुजो हो दास मना काळजा तुजोच गे घ्यास.

- संदेश नेरूरकार

हया कवितेंतल्यान आमकां जाणावता तें म्हणजे सगल्या लोकांच्या काळजांत देवी लयराय बसल्या. तिची पुजा अर्चना आमी सदींच करतात. देवी लयरायचें रूप पळोवन मन सारकें तल्लीन जाता. भजानाच्या रूपान लयरायचें नांव

आयकून मनाक धादोसकाय मेळटा. आनी जेन्ना तिचें दर्शन घेतले उपरांत मनांतलो सगलो ताण ना जाता. अडी अडचणी आयल्यो जाल्यार देवी लयराय सगल्या भक्तगणांक पावता. ह्या कारणांक लागून सगल्यांच्या ओंठार देवी लयरायचें नांव आसता.

### 5.5.3 श्री देवी लयराई

देवी तूं सासणाची,

भक्तगण आयला धांवून वेळ कौल व्हरपाची

मोगरेचो ध्यास तुकां आस तुकां भक्तांची,

सगळीं आयज जमल्या हांगां वाट पळयत जात्रेची,

घेवंक कौल लायता हाजेरी लागता पावलां देवळाचीं,

देवी लयराई आसत वांगडा तांका राखण तिन्ही जगाची,

फुल्लो सगळो शिरगांवचो वांठार मोगरेच्या कळ्यानी.

- शिल्पा लाड

हे कवितेंतल्यान बरोवपी अशें सांगता. की देवी लयराय तूं सासणाची आसून भक्तगण सगळे धांवून येतात तुजो कौल व्हरपाक. मोगरेच्या कळ्यांची देवी

लयरायीक खूब आवड. मोगरेच्या कळ्या वागंडा तिका आपणाल्या भक्तांची खूब आस आसा अशें कवी सांगता. गोंयांतले सगले लोक वाट पळयत आसता देवी लयरायीचे जात्रेची, हजारानी भावीक व्हडा संख्खेन गर्दी करतात. पुराय शिरगांवचो गांव मोगऱ्याच्या कळयानी फुल्लीलो दिश्टी पडटा. अशें चित्र आमच्या दोळ्यां मुखार कवी उबें करता.

### 5.5.4 शिरगांवची आई म्हजी देवी ल्यराई गे तूं

सजल्या पांचव्या कापडान,

बसून तांब्या कळशांत गे तूं

मोगरेच्या फुलांनी कळशांत गे सजल्या,

दवरून काळजार हात, भक्तांक तुवेन राखल्या,

मोगऱ्यांची फांती घेवन दारान तुज्या येता,

गाजयता तूं संवसार करता तूं चमत्कार,

दाखयलें तुजें रूप अग्नीतल्यान,

वैशाख पंचमीक जात्रा तुजी भरता,

धोणांक घेवन उमेदीन तूं नाचता.

हातींत घेवन बेतां, तोडांत फक्त लयरायी माता,

शिरगांवची आई म्हजी देवी लयरायी गे तूं

उल्याक तूं पावता, आमचे आई गे तूं.

- श्रध्दा नायक

हे कवितेतल्यान आमकां कळटा की लयराय देवी पांचवें कापड न्हेसून कळसाच्या रूपान काळजार हात दवरून देवळांत बसल्या. जण एका भक्तगणाक ती राखता. दर एक भावीक मोगऱ्याच्या कळ्यांची फाती घेवन देवी लयरायीचें दर्शन घेवंपाक सोदतात. पुराय गोंयांत तिचो चमत्कार गाजता.

देवी तुवें तुजें रूप आमकां होमखणाच्या अग्नीतल्यान दाखयल्लें आसा. वैशाख पंचमीक जात्रे दीस हजारानी धोंडाक घेवन तूं नाचता. ह्या वर्णनातल्या सगळ्यांच्या तोंडार फक्त एकूच नांव आसता. ते म्हळ्यार शिरगांवची आई देवी लयरायी.

## 5.6 वर्तमान पत्रीय लेख

### 5.6.1 'लयरायीची जात्रा आनी भक्तांची उमेद'.

'लयरायीची जात्रा आनी भक्तांची उमेद'. हो लेख आयतरा, 23 एप्रिल 2023 ह्या दिसा *भांगरभूंय* ह्या दिसाळ्यांत प्रकाशीत जाला.

ह्या लेखांत आमकां जायत्यो गजाली कळटात. बरोवपी सांगता की गोंयांत खूब जात्रा, काले जातात. पूण देवी लयरायीची जात्रा ही गोंयच्याच लोकांची न्हय तर महाराष्ट्र, कर्नाटक ह्या राज्यांतले लोक लयरायीच्या जात्रेक येतात. फक्त देवीचें धोंड न्हय तर दर एक मनीस भक्तगण ह्या जात्रेची व्हडा उमेदीन वाट पळयता. जात्रे वेळार शिरगांवचो गांव सारको नवी व्हंकल कशी सजयल्ले आसता.

देवी लयरायीक मोगरेच्या कळ्यांचो ध्यास आसा. दर एकलो धोंड आपणाल्या गळ्यांत मोगऱ्याची माळ घालता. फांतोडेर वेळार जेन्ना होमखणातल्यान तो प्रवेश करपाचो आसता, तेन्ना "बोला पुंडलीक वरदे हरी विठ्ठल, पार्वती पते हर हर महादेव. सिता कांत स्वरणम जय जय राम. श्री गुरुदेव दत, श्री लयरायी माता की जय." हो एकूच गजर धोंडाच्या तोंडार आसता. आनी होमखणातल्यान उकत्या पांयानी ते चलत वयतात. इतकेंच न्हय तर त्या

दिसा शिरगांवा खूब गर्दी आसता. पयस पयसुल्ले लोक ह्या जात्रेच्या निमतान देवीचें दर्शन घेवपाक शिरगांवा येतात.

### 5.6.2 लोकसंस्कृतीतली लयरायी

लोकसंस्कृतीतली लयरायी हो लेख राजेंद्र केरकर हांचो 6 मे 2019 दिसा *गोमन्तक* ह्या दिसाळ्यांत प्रकाशीत जाला. ह्या लेखात आमकां जायत्यो म्हत्वाच्यो गजाली कळटा. बरोवपी सांगता की गोंयांतले जे लोक आसा, ते कश्या तरेन देवी लयरायीक मानतात. दर एक मनीस कश्या तरेन देवी लयरायीची पुजा करता, आनी तिच्या विधी, उत्सवाक शिरगांव देवीचें दर्शन घेवपाक येतात. इतकेंच न्हय तर लयरायीच्या जात्रे वेळार तिच्या भक्ताची उपाट गर्दी पळोवंपाक मेळटा. तर ह्या लेखा भितर लेखक होमखणांचें म्हत्व सांगता. आनी कश्या तरेन नवे धोंड देवीचे व्रत पाळटात हांचो उल्लेख आमकां ह्या लेखा भितर जाणावता. लयरायच्या देवळांत रातच्या वेळार धोंड कश्या तरेन बेटाचे बेट घेवन नाचता. हो सगलो प्रकार आमकां ह्या लेखा भीतर आस्पावंक मेळटा.

अदीक म्हायती खातीर परिशिश्टः 1 पळयात.

## संदर्भ:


1. केरकर, पौर्णिमा. शिरगांवची धोणांची जात्रा’ *गोमन्तक*, ता.30 एप्रिल 2017.
2. कांबळी, दीपसाईल. ‘लईराईच्या उत्सव जगप्रसिद्‌ध’ *लोकमत*, ता.30 एप्रिल 2017.
3. नेरुरकार, संदेश. आई म्हजी लयराई, *भांगरभूंय*, मंगळार 25 एप्रिल 2023.
4. लाड, शिल्पा. श्री देवी लयराई, *भांगरभूंय*, मंगळार 25 एप्रिल 2023.
5. गांवकर, प्राजक्ता. श्री देवी लयराई, *भांगरभूंय*, आयतार 23 एप्रिल 2023.
6. सावंत, चिन्मयी. *धालो गे सये*, सौ. गौतमी सावंत, आसगांव गोंय. जानेवारी 2024.
7. नेसरकार, संदेश. आई म्हजी लमराई, *भांगरभूंय*, बुधवार 4 मे 2022.
8. नायक, श्रध्दा. शिरगांवची आई देवी लईराई, *गोमन्तक*, 5 मे 2022.
9. भांडारे, पुजा. आई तुझी थोरवी गाऊ कशी, *गोमन्तक*, सोमवार 6 मे 2019.

10. Mankekar, Kamla. *Culture religious traditions in temples of Goa.* Publications Division, Ministry of Information & Broadcasting, Government of India,2004.

11. केळेकार, गुरुनाथ. *गोंयां तुज्या मोगा खातीर.* कामत बिल्डिंग, मडगांव: गुरुनाथ केळेकार,१६ नोव्हेंबर २०१७.

12. भांडारे, पुजा. आई तुझी थोरवी गाऊ कशी, गोमन्तक, सोमवार 6 मे 2019.

# <u>प्रकरण सवें</u>

# 6. समारोप आनी निश्कर्श

## 6.1 समारोप

ह्या म्हज्या प्रबंधिकेंत स प्रकरणां आसात. पयल्या प्रकरणांत हांवें प्रस्तावना विशय प्रवेश आस्पावीत केल्ल्या. तातूंत गोंयच्या संदर्भांत भाश्य केलां. गोंयांत कितल्यो देव देवता आसा हाची म्हायती दिल्या. तशेंच गोंय ही परशुरामाची भूंय कित्याक म्हणटात हें तातूंत मांडिल्लें आसा. गोंय प्रदेसांत खंयच्या राजवटीनी राज्य केलां हांच्यो देखी हांवें दिल्ल्यो आसात. विशय प्रवेशा भितर हांवें गोंयांत जावपी हेर जात्रा विशीं सांगलां, आनी गोंयांतल्या वेग वेगळ्या वाठारांनी जावपी होमखणांच्या जात्रा विशीं भाश्य केलां.

दुसऱ्या प्रकरणांत हांवें गोंयांतल्यो देवी आनी देवांचीं देवस्थानां हो मुद्दो मांडलो. तशेंच गोंयांलीं पुरातन देवळां हांचेर भाश्य केलां. गोंयांत जावपी कांय होमखणांच्यो जात्रा हो विशय घेवन तो विस्तारान मांडला.

तिसऱ्या प्रकरणांत हांवें श्री देवी लयरायीची म्हयमा, धार्मिक विधी आनी भक्तगण हो विशय मांडला. तशेंच लयराय देवीचें शिरगांव गांवांत आगमन, सात भयणी आनी एका भावाची अद्भूत काणी, लयरायीची बाटिल्ली भयण मिलाग्र देवी, देवी लयरायची तळी आनी लयराय देवीचें वर्सुकी उत्सव ह्या विशयाचेर भाश्य केलां.

चवथ्या प्रकरणांत भितर श्री  देवी  लयरायीची जात्रा, लयराय देवीचें होमखण, लयराय देवीचो कौल आनी देवीचे धोंड हांचेर अभ्यास करतना थळावे लोक आनी  भाविकांच्यो मुलाखती घेवन म्हायती एकठांय केल्या.

पांचव्या प्रकरणांत हांवें श्री देवी लयरायीचेर बरयल्ले मौखीक आनी लिखीत साहित्याचो सोद घेतला.  देवी लयरायीचेर बरयल्ली फुगडी, गितां, अभंग, आरती, कविता आनी वर्तमानपत्रीय  लेख हांचो सोद घेतला. आनी निमण्या प्रकरणात हांवें समारोप आनी निश्कर्श मांडल्यात.

म्हज्या ह्या संशोधनातल्यान एक जाणावता की दर एक मनीस आपल्यो दिसपट्टयो गरजो, त्रास, तणाव कमी जावचो आनी आपणाक सुखान जीण जगूक मेळची म्हूण खंयच्या ना खंयच्या देव देवतांची पुजा, अर्चना करता. त्या देवाचेर आपणाली श्रध्दा दवरता.

शिरगांव  गांवची  देवी  लयरायी गोंय आनी गोंया भायर कशी फामाद आसा ताचे फाटलीं कारणां कितें आसात ताचो हांगां सोद घेतला. देवीची महिमा लोकांचेर कशी आसा. वेगवेगळ्या जाती धर्मातले लोक देवीच्या पायांकडेन कशे तरेन नतमस्तक जातात हें हांवें प्रबंधिकेतल्यान मांडलां

## 6.2 निशर्कश.

1. गोंयांत साबार देव देवतांचीं देवळां आसात. तातूंत थळाव्यो देव देवता आनी वैदीक देवता आसात. ह्या थळाव्या देव तांच्यो होमखणांच्यो जात्रा जातात.

2. गोंयांत कांय पुरातन देवळां आसून त्या देवळांक लागून गोंयच्या धर्मीक वातावरणांत भर पडिल्ली आसा.

3. गोंयांत होमखणाच्यो जात्रा जातात, तातूंत जायतीं वेगळेंपणां दिसून येता.

4. लयराय देवीचे भावीक आनी धोंडाच्या मुलाखतींतल्यान देवी कितली लोकमनसांत घर करून आसा ताचो दिश्टावो घडटा.

5. मंगळार हो दीस देवी लयरायीचो आसून ते दीस देवळांत येवपी भाविकांची संख्या खूबच मोठी आसा.

6. देवी लयरायीचो कळस म्हत्वाचो आसून हे देवीक कळस रूपांत पुजपाची परंपरा आसा.

7. लयरायी देवीचेर बरयल्लें साहित्य वाचतकच ती कितली म्हत्वाची देवी आनी भावीक तिका कित्याक भजतात हें कळून येता.

8. धालो आनी फुगडी सारक्या मौखीक गितांनी दे देवीचो आदरान केल्लो उल्लेख मेळटा.

9. कवी आनी गितकारानी देवी लयरायीचेर बरयल्लें काव्य मेळटा. आपल्या ह्या लेखनातल्यान ताच्यानी तिचें व्हडपण गांयलां.

10. लयराय देवीचेर अभंग आनी आरती लेखन जाल्लें आसून अशे तरेंचे लेखन संख्येन चड आशिल्लें जाणावता.

**परिशिश्ट- 01: लयराय देवीचेर बरयल्लें वर्तमान पत्रीय लेख.**


1. केरकर, पौर्णिमा. शिरगांवची धोणांची जात्रा' *गोमन्तक*, ता.30 एप्रिल 2017.
2. कांबळी, दीपसाईल. 'लईराईच्या उत्सव जगप्रसिद्ध' *लोकमत*, ता.30 एप्रिल 2017.
3. गोवेकर, ओंकार. 'सिद्ध अग्निकुंडाल विशेष म्हत्व' *लोकमत*, ता.30 एप्रिल 2017.
4. नायक, नारायण. 'लईराई देवीचा अग्निदिव्य महिमा' *गोमन्तक*, गुरुवार ता. 9 मे 2019.
5. केरकर, राजेंद्र. 'लोकसंस्कृतीतली लईराई' *गोमन्तक*, शुक्रवार ता. 6 मे 2019.
6. नायक, गौरांग. 'लयराई सायबिणीची सासास' *भांगरभूय*, आयतार ता. 16 मे 2021.
7. तिळवे, सिध्दी. 'गोंयची सगल्यांत व्हडली जात्रा आयज' *भांगरभूय*, आयतार 5 मे 2022.
8. नायक, गौरांग. 'सायबीण' *भांगरभूय*, *शुक्रार* 6 मे 2022
9. नायक, नारायण. 'श्री लईराई देवीची जात्रा' *गोमन्तक*, गुरुवार 5 मे 2022.

10. तिळवे, सिध्दी. 'माता लयराई जात्रा' *भांगरभूय*, आयतार ता.23 एप्रिल 2023.

11. नायक, गौरांग. 'आवय ये लमराई' *भांगरभूय*, आयतार ता.23 एप्रिल 2023.

12. कवळणकर, हर्षा. 'लयराईची जात्रा आनी *भक्तांची* उमेद' भांगरभूय, आयतार 23 एप्रिल 2023.

13. नागवेंकर, पुजल. 'एकवटाचें दर्शन घडोवपी उत्सव' *भांगरभूय*, आयतार 23 एप्रिल 2023.

14. गांवकर, संजना. 'लयराय म्हजी आई' *भांगरभूय,* सोमार 24 एप्रिल 2023.

15. नायक, शंकर. 'देवी लयरायचो कौल उत्सव' भांगभूय, मंगळार 25 एप्रिल 2023.

**परिशिश्ट - 02: लयराय देवीचें व्रत आनी शिरगांव जात्रे संदर्भात दिसाळ्यांनी आयिल्ल्यो कांय बातम्यो.**

1. कुंभारखण वाळपई सत्तरी येथील लईराई देवीच्या धोडांनी झाडे लावून पर्यावरण संतुलन ठेवण्याचा संदशे दिला आहे. - *लोकमत,* पान क्रं 24 एप्रिल 2023.
2. म्हावसांतल्या सौजन्यान साकारलें श्री लयराई देवीचें सुबक चित्र. *भांगरभूंय*, 23 एप्रिल 2023.
3. साळ येथेही लहराईच्या धोडांचे व्रत. *लोकमत*, 24 एप्रिल 2024.
4. लयराई देवीचे जात्रेक शिरगांव तयार. *भांगरभूंय*, 23 एप्रिल 2023.
5. शिरगांवात धोंडांनी साकारले अग्निदिव्य., *गोवन वार्ता* ,7 मे 2022.
6. लईराई देवीच्या जात्रोत्सवासाठी शिरगांव सज्ज. *गोवन वार्ता*, 4 मे 2022.
7. साळ येथील भक्तगणात उत्सव. *गोवन वार्ता*, 4 मे 2022.
8. लईराई जात्रोत्सवास प्रशासन सज्ज. 500 गणवेशधारी, 150 वाहतूक पोलीस तैनात. *गोवन वार्ता*, 5 मे 2022.
9. चोन्साई पार्से येथे 45 धोंड व्रतस्थ. *गोवन वार्ता*, 5 मे 2022.

**परिशिश्ट – 03: लयराय देवीचे वर्सुकी उत्सव.**

1. माघ शु. षष्टी –होमखंडी वर्धापन दीस

2. माघ शु. अष्टमी –समराधना (मुड्डी)

3. माघ कृ. अष्टमी –नवचंडी

4. माघ कृ. नवमी –श्री लयरायचो वाढदीस

5. वैशाख शु. प्रतिपदा–गणपती शारादा

6. वैशाख शु. पंचमी –श्री लयराय देवीची जात्रा

7. श्रावण –श्रावणी सोमार

8. आश्विन शु. प्रतिपदा –घटस्थापना

9. कार्तिक –नवो मंगळार

10. कार्तिक शु. एकादशी –भजनी सप्ताह

11. कार्तिक कृ. पंचमी –कालोत्सव

12. कार्तिक कृ. षष्ठी –गवळण कालो

**परिशिश्ट – 04: युट्युबाचेर देवी लयरायचेर आदारीत अभंग, आरती आनी नाटकुलीं.**

1.https://youtube.com/shorts/0iRKN2HUbo4?si=nHSb8JLyikyddа5j

2.https://youtu.be/HESXc9_7_wA?si=1YJIwGeB8k360VLE

3.https://youtube.com/shorts/9ECMZRi4RaE?si=ku5vDDsugVCzybSM

4.https://youtu.be/7RBjWE9AZC0?si=vfuhQq_GU51ktvm1

5.https://youtu.be/roW-LhwwGIQ?si=vDkdbvWGr81ctLrV

6.https://youtube.com/shorts/_9wGRg75YLA?si=KDS81-aUcb_EEWZs

7.https://youtu.be/n8FJcx1w1W0?si=7jxp0SQM4m5ZbCpK

8.https://youtu.be/-_j9BUwMgNw?si=bb3LqTeCimWbtIUA

9. https://youtu.be/cMZ3jaqzdbg?si=GmJaQ6wKT30oqyTQ

10.https://youtube.com/shorts/n5IuceNHzx4?si=1flZDxx2I26m3e3H

**परिशिश्ट - 05: देवी लयरायचेर बरयल्ल्यो कविता.**


1. नेरुरकार, संदेश. आई म्हजी लयराई, *भांगरभूंय,* मंगळार 25 एप्रिल 2023.
2. लाड, शिल्पा. श्री देवी लयराई, *भांगरभूंय,* मंगळार 25 एप्रिल 2023.
3. गांवकर, प्राजक्ता. श्री देवी लयराई, *भांगरभूंय,* आयतार 23 एप्रिल 2023.
4. नायक, संजना. संकटरक्षी आई लयराई, *भांगरभूंय,* आयतार 23 एप्रिल 2023.
5. नेसूरकार, संदेश. आई म्हजी लयराई, *भांगरभूंय,* 9 मे 2022.
6. देऊलकार, अंकिता. आई म्हजी लयराई, *भांगरभूंय,* शेनवार 7 मे 2022.
7. नेसरकार, संदेश. आई म्हजी लमराई, *भांगरभूंय,* बुधवार 4 मे 2022.
8. नायक, श्रध्दा. शिरगांवची आई देवी लईराई, *गोमन्तक,* 5 मे 2022.
9. भांडारे, पुजा. आई तुझी थोरवी गाऊ कशी, *गोमन्तक,* सोमवार 6 मे 2019.

**परिशिश्ट - 06: गोंयांत जावपी कांय होमखंडाच्यो जात्रा.**

1. शिवोली हांगासर जावपी होमखण उत्सव दर वर्सा पाडव्या दिसा जाता. हांगासर कोणींय त्या होमखणांतल्यान गेल्यार जाता.
2. सर्वण गांवच्या होमखणांतल्यान कोणेंय गेल्यार जाता. पूण तांच्या पयली एकलो दादलो थंय एक चंद्रजोत घेवन उबो आसता ताच्या हातांतल्यान तिर्थ घेवचें पडटा आनी उपरांत त्या होमखणात वचपाक मेळटा. हें होमखण शिगम्याच्या दिसानी जाता.
3. कारापूर गांवांत होमखण उत्सव जाता. हे होमखांण देवी कुलमाया देवळांकडेन पेट्टा. हे होमखांण तांच्या जात्रे वेळार जाता. आनी तातूंतल्यान कोणें प्रवेश केल्यार जाता.
4. साळगांव ह्या गांवांत तशेंच कोणूय, खंयच्या जाती धर्माच्या लोकानी होमखणांतल्यान प्रवेश केल्यार जाता.
5. बोर्डे दिवचल हांगासर देव व्हडेश्वराचें होमखण उत्सव शिगम्याच्या दिसानी जाता. आनी थंय फक्त दिवचल गांवच्या धोंडांक होमखणांतल्यान वचपाक मेळटा.
6. चोडणा गांवांतले होमखण शिगम्याच्या दिसानी जाता. तें होमखण भुमिका देवीच्या देवळां कडेन जाता. आनी ह्या होमखणांतल्यान कोणी गेल्यार जाता.

7. चोडणा गांवांतले दुसरें होमखांण देवकीकृष्ण देवळा कडेन जाता. हे होमखण तांच्या जात्रे वेळार पेट्टा आनी कोणूय त्या होमखणांतल्यान गेल्यार जाता.
8. कुडण्या हांगासर जावपी होमखण उत्सव देव कुडणेश्वर हांच्या जात्रेच्या वेळार पेट्टा. थंयच्याच गांवातले धोंड त्या होमखणांतल्यान वयता. पूण पांच दिस पयली देवाचे एकवाद पाळचे पडटा.
9. सुर्ला गांवकर वाड्यार होमखांण पेट्टा. हे होमखण शिगम्याच्या दिसानी जाता आनी गांवातलेच लोक तातूंतल्यान वयता.
10. सातेरी ब्राम्हाणी महादेव देवस्थानाचें होमखांण उत्सव तिच्यां जात्रेच्यां वेळार बेतकीकर वाडयार जातात. आनी त्या गांवचेंत लोक होमखणांतल्यान प्रवेश करता.

**परिशिश्ट - 07: देवी लयरायचेर बरयल्लीं पुस्तकांनी वा हेर लेखकांच्या पुस्तकांनी आयिल्लो देवीचो संदर्भ**


1. केळेकार, गुरुनाथ. *गोंयां तुज्या मोगा खातीर*. कामत बिल्डिंग, मडगांव: गुरुनाथ केळेकार,१६ नोव्हेंबर २०१७
2. भोसले, सर्वेश. *डोब, एक लोकवाद्य (लोककला),* गोंवा कोंकणी अकादेमी, पणजी, 2017.
3. नायक,जय. *'शिरगांवची सासाय'*. जय नायक भामय पाळी-गोंय, 2012.
4. सावंत, चिन्मयी. *धालो गे सये,* सौ. गौतमी सावंत, आसगांव गोंय. जानेवारी 2024.
5. Couto, Maria. *Goa a daughter's story.* New Delhi Toronto : Penguin Books,2005.
6. Deshpande, Aruna: *India A travel guide.* Darya Ganj, New Delhi: Crest publishing house, 2000.
7. Mankekar, Kamla. *Culture religious traditions in temples of Goa.* Publications Division, Ministry of Information & Broadcasting, Government of India,2004.

8. Pereira, Gomes Rui. *Hindu temple*, Broadway publishing house,2019.
9. https://m.wikisource.org/wiki/Page:Konkani_Viswakosh_Vol2.pdf/407

**परिशिश्ट - 08: लयराय देवीच्या धोंडांच्यो घेतिल्ल्यो मुलाखती.**

1. देवी लयरायीचो इतिहास, शिरगांव, श्रीपाद जोशी, 28 ऑगस्ट 2023.
2. लयरायी देवीचे व्हडपण, जात्रा हेमखण कौल, शिरगांव, अरूण गांवकार,15 सप्टेंबर 2023.
3. लयरायी देवीच्या धोंडाचें व्हडपण, शिरगांव, गजानन च्यारी, 2 ऑक्टोबर 2023.
4. लयराय देवीचे चौगुले, शिरंगांव, नितीन शिरगांवकर, 5 जानेवारी 2024.
5. लयरायीच्या जात्रेचें म्हत्व, शिरगांव, जितू शिरगांवकर, 15 जानेवारी 2024.

## परिशिश्ट - 09: गोंयांत जावपी होमखंडाचे जात्रेचे फोटो.

**पिळगांव गांवचें होमखण**



**शिवोले गांवचें होमखण**



**सर्वण गांवचें होमखण**



**चोडण गांवचें होमखण**



**बोर्डें - दिवचल गांवचें होमखण**



**शिरगांव गांवचें होमखण**



## परिशिश्ट - 10: देवी लयराय आनी तिच्या भावंडांचे फोटो.

### देवी लयराय




### देवीचीं भावंडां



## परिशिश्ट - 11: देवी लयरायचे उत्सवाचे फोटो


**लयराय देवीचो वाढदीस**




**लयराय देवीची लालकी**



**देवीचो कोलोत्सव**




**अग्नीदीव्यात प्रवेश करताना**



## परिशिश्ट - 12: शिरगांवचे थळांवे फोटो.

### देवीचे आदिस्थान मुड्डेर



### श्री लयराय देवीचें देवूळ



### वडाकडेन



### देवीची तळी



## परिशिश्ट - 13: लयराय देवीच्या धोंडांचे फोटो.





